**27 एप्रील, 2017 दिसा सकळीं 10:30 वरांचेर टिळक मैदान, वास्को हांगा**

**मुरगांव बंदराच्या प्रस्तावीत प्रवेश चॅनलाच्या आनी इनर बेजिनाच्या कॅप्सायज जहाजां खातीरच्या खोलायीकरण प्रकल्पा खातीर जाल्ले पर्यावरणी भौशीक सुनावणेचो इतिवृत्तांत.**

ही भौशीक सुनावणी 14 सप्टेंबर, 2006 चे सुधारीत पर्यावरणी प्रभाव तपसणी अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडली. श्री. जॉन्सन फर्नांडीस, अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी II आनी अतिरिक्त दंडाधिकारी, दक्षिण-गोंय आनी हे सभेचे अध्यक्ष हांणी सभेंत जमिल्ल्या सगळ्यांचें स्वागत केलें आनी प्रकल्प प्रस्तावकान ताचें सादरीकरण केले उपरांत जांकां कोणाक तांचीं मतां, हरकती वा सुचोवण्यो मांडपाच्यो आसत तांणी त्यो मांडच्यो अशी विनवणी तांणी केली.

उपरांत प्रकल्प प्रस्तावकान पावर पॉयंट प्रेजेंटेशन करून ह्या प्रकल्पाची कोंकणी भाशेंतल्यान महिती लोकांक करून दिली.

ताचे उपरांत सभेच्या अध्यक्षांनी जे कोण हाजीर आसात तांकां तांचीं मतां, हरकती, आसल्यार मांडपाची विनंती केली. हीं सगळीं नोंद करून पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्याक धाडटले अशें तांणी सांगलें. ते प्रमाण सकयल दिल्ल्या व्यक्तिंनी आपलीं मतां दिल्यांत वा हरकती मांडल्यात.

1. **श्री. अविनाश तावारीश**
   a. प्रवेश चॅनलाच्या आनी इनर बेजिनाच्या खोलायकरणाक विरोध केलो.
   b. प.रा.ह.ब.मं. च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास प्रकल्प थळ केंद्र बिंदुचेर दवरून 15 कि.मी. वाठारा खातीर करपाक जाय आशिल्लो. चॅनलाची लांबाय 10 कि.मी. आशिल्ल्यान तो एके लायनीच्या रुपांत दाखोवपाक जाय आशिल्लो, बिंदुच्या न्हय.
   c. चॅनल बिंदुच्या रुपांत दाखोवपाच्या वॅपकोसाच्या तर्का विशीं विचारलें.
   d. चॅनलाचे शिमेच्या 10 कि.मी. त्रिज्या भोंवतणेचे दोनूय वटेनच्या अभ्यास क्षेत्राची एकूण रुंदी 30 कि.मी. आसूंक जाय आशिल्ली.
   e. 10 कि.मी. वाठारांतली दुय्यम माहिती आनी 5 कि.मी. वाठारांतली प्राथमीक माहिती एकठांय करपाक जाय आशिल्ली, तशी ती प्रकल्प प्रस्तावकान करूंक ना. एकूण माहिती 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतली आसूंक जाय आशिल्ली. हें सं.सं. चें उल्लंघन आसा.
   f. 8 समुद्री थळां तपासपा खातीर नेमिल्लीं. पूण तांतूतलें एकूय थळ पूर्वे कडेन - खारीवाड्याचेर नाशिल्लें, म्हणून तांणी निशेध केलो. सेन्सर चिखलीचे आनी सेंट. जेसिंतो आयलँडाचे दक्षिणेक नाशिल्ल्यान एकूय नमुनो घेवंक ना.
   g. पर्यावरणी नदरेन संवेदनशील आशिल्ले तशेंच कोरल आनी हेर दुर्मीळ प्रजाती आशिल्ले चिखलीचे आनी सेंट. जेसिंतो आयलँडाचे कडल्यान एकूय नमुनो घेवंक ना.
   h. झुवारीचो मध्य हें केंद्र धरलें जाल्यार हो प्रकल्प उत्तर गोंयांत पडटा काय दक्षिण गोंयांत? असोय प्रस्न तांणी केलो. ड्रेजींग दर्यांत जाता आशिल्ल्यान दोनूय जिल्ल्यांचेर सम प्रभाव पडटलो. देखून ह्या प्रकल्पाचें अधिकार क्षेत्र खंयचें?
   i. प.रा.ह.ब.मं.चे 14-09-2016 चे अधिसुचोवणे प्रमाण भौ.सु. उत्तर गोंयांत लेगीत घेवपाक जाय आशिल्ली.

j. देखून ही सुनावणी रद्द करची. गौंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान जिल्ल्याधिकाऱ्यांक सारकी कल्पना दिवंक ना.

k. चित्रांत दाखयल्ले प्रमाण ब्रेकवॉटराचे पश्चिमे कडल्या एका कार्गो टर्मिनलाचो संदर्भ दिवन हो अभ्यासाचो वांटो नाशिल्लो अशें तांणी म्हणलें. हो टर्मिनल आनी प्रकल्पाचो भाग कार्यान्वयीत करतले?

l. खोलायकरण आनी ड्रेजिंगा उपरांत बंदरांत येवपी कार्गोच्या उद्देशा विशीं हरकत घेतली. प.प्र.त. पुरायपणान अर्दकुटो आनी चुकीचो आसा.

m. प्रवाहा विशींचो (जल भूंयगर्भी) अभ्यास सी.डब्ल्यू.पी.आर.एस. हांणी अर्दकुटो केला. हांणी दोनूच केंद्रां वयल्यान तपासणी केल्या. प्रकल्प सुरू जावचो हे नदरेन अभ्यास केला.

n. 7 मी. मेरेन खोलायेची माहिती घेतल्या. पूण ते सकयल्ल्या खोलायेचो कसलोच अभ्यास करूंक ना. ड्रेजिंग 20 मी. मेरेन करतले, देखून व्यापक सिमुलेशन करपाची गरज आशिल्ली. न्हंयेच्या वाऱ्याची गती, वाऱ्याची दिशा भरती सुकतीची माहिती, हांची माहिती ना. हेर माहिती चुकीची आसा आनी ती चुकल्या देखून तिचे निकालूय चुकल्यात.

o. मीक 21 हें सॉफ्टवेअर कित्याक वापरलें? तें एक 2डी सॉफ्टवेअर आसा जें समुद्रविज्ञान न्हय दर्यादेगी अभ्यासा पुरतें मर्यादीत आसा. तें दर्यातल्या विंगड विंगड पांवड्या वयल्या खोलायांचो सोद घेना. ह्या प्रकल्पाक 3डी सॉफ्टवॅअराची गरज आशिल्ली. झुवारी खाडींतल्या गाळ विस्थापना विशीं प.प्र.त. अहवालांत कांयच सांगिल्लें ना. सी.डब्लू.पी.आर.एस. हांचो अभ्यास अर्दकुटो आसा. गाळ उसपुपाचो पर्यावरणाचेर विपरीत परिणाम जातलो. चित्र 4.1 चॅनलाचें आसा तें खोल समुद्री विश्लेशणा खातीर वापरूंक येना. देखून सी.डब्लू.पी.आर.एस. चे निश्कर्श भायर मारपाक जाय.

p. विलो सुवातेचेर प्र.प्र.न समुद्री परिक्षण करूंक ना, अशें अहवाल सांगता.

q. वॅपकोसान केल्ली ही एक गंभीर चूक. बंदरा लागीच्या गाळांतलें जड धातुंचें प्रमाण खाडीमध्यांतल्या प्रमाणा परस  दोब्राद आसा, देखून प.प्र.त.त गाळाचो अभ्यास गरजेचो आशिल्लो.

r. समुद्री पर्यावरण येवजणेक अंमलबजावणे खातीर सुचोवण्यो नात.

s. ड्रेजिंग ऑपरेटराशचेर / सुपरवायजराचेर सारकें नियंत्रण नाशिल्ल्यान ड्रेजिंगाची देखरेख कोण करतलो?

t. खदुळसाण पुर्तताय मानकस्तर निश्चीत केल्ले नात.

u. संकट निर्माण जालें जाल्यार संकटकारी देखरेखेची कसलीच व्यवस्था अहवालांत केल्ली ना.

v. समुद्री वेवस्थापन येवजण गरज आसुनूय बी कंपनीन केल्ली ना. वेवस्थापन सारकें नाशिल्ल्यान ताची सारकी अंमलबजावणी जावची ना. येवजण अर्दवट आनी परिणामशून्य आसा.

w. अहवाल तयार करपी जाणकारांची वळेरी दिवंक ना.

x. ड्रेजिंग विशींचो जाणकार कमिटींत आसा काय ना? म्हूण तांणी प्रस्न विचारलो. तशे जाणकार नाशिल्ल्यान अहवाल उण्या दर्जाचो जाता.

y. ड्रेजिंगा खातीर 3डी सॉफ्टवेयर कित्याक वापरुं ना? आनी ड्रेजरांची क्षमताय कितली आनी तांच्या वापराची पद्दत कशी? असोय प्रस्न तांणी विचारलो.

z. एम.पी.टी.च्या प्रतिनिधीन जाप दिवंक ना.

aa. ड्रेज केल्ली सामुग्रेंतल्या उदकाचो विलो लायतले? तें थंयच उडयतले काय हेर कडेन? ताचो समुद्री पर्यावरणाचेर कितें परिणाम जातलो अशें अविनाश तावारिशान विचारलें. एम.पी.टी.च्या प्रतिनिधीन ताचो 14 कि.मी. पयसुल्ले विलो सुवातेंत विलो लायतले आनी ताचो पर्यावरणाचेर कांयच परिणाम जावचो ना अशी जाप दिली.

bb. हाची जाप एका अप्रकाशीत अहवालांत आसा, अशें प्र.प्र.न सांगलें.

cc. ड्रेज केल्ले सामुग्रेचो विलो लायिल्ल्यान ताचो गंभीर पर्यावरणी प्रदुशण जातलें आनी समुद्री परिस्थितिकी नश्ट जातली.

dd. सिमुलेशनाच्या काळा संदर्भात प्रस्न केल्लो. 3200 सें.मी. खातीर एक म्हयनो सिमुलेशन केलें, पूण प्रत्यक्षांत 4 म्य्हने सामुग्रीचो विलो चालू आसतलो. दर्या कडल्यान विलो सुवाते मेरेन व्हरतना कॉन्ट्रेक्टर खर्च वांटावपा खातीर सामुग्रेची मुद्दाम गळटी करता. ही तांची सदची पद्दत. अपघाती गळटे कडेन लेगीत प्र.प्र.न आडनदर केल्या. ड्रेजिंगाच्या तळा कडली गेट उक्ती करून इंधन वांटावपा खातीर मुद्दम गळटी करतात. ताची कसलीय तपासणी करतात? म्हूण तांणी प्रस्न केलो. ताचो प.प्र.त. त कांयच उल्लेख ना म्हूण तांणी शीण काडलो.

ee. विलो थळ वेंचून काडटा आसतना ते बेश्टेंच सोदून काडलां. ताचे विशीं कसलोच गंभीर विचार करूंक ना असो आरोप तांणी केलो. सी.डब्ल्यू.पी.आर. ही एक किनारपट्टी सल्लागार कंपनी. तांकां खोल समुद्रविज्ञानाचो अनुभव ना अशें मत तांणी मांडलें.

ff. झूज, अतिरेकी हल्लो, गळटी आनी विस्वासघात हांचे वेळा वयले सज्जताये विशीं कांयच सांगिल्लें ना.

gg. जहाजां एकामेकांचेर आपटलीं वा गळटी जाली जाल्यार कसलीच सतर्कताय कंपनी कडेन ना. ड्रेजिंगाक लागून घडपी आपत्तींक तोंड दिवपाक कंपनी सज्ज ना.

hh. ह्या प्रकल्पाक लागून अर्थीक उदरगत जातली आनी रोजगार निर्मणी जातली अशें प.प्र.त.तलें विधान चुकीचें आसा. गोंयकारांचो कसलोच विकास जावचो ना.

ii. प.प्र.त. अहवाल असंबद्ध, अविस्वासार्ह आनी उखलापो आसा. देखून तो भायर मारूंक जाय आनी चॅनल ड्रेज करपाची परवानगी एम.पी.टी.क दिवंक जायना.

jj. खणून कितें काडटात? फकत माती, चिकणमाती वा आनीक कितें? एका मेंटेनन्स ड्रेजिंगाच्या टेंडरांत कांट्रेक्टरान माती, चिकणमाती, कॉक्रीट ब्लॉक, सांखळयो, नांगर, वायरी बी उसपून काडच्यो पडटल्यो, अशें बरयल्लें. हाचो प.प्र.त भितर कित्याक उल्लेख करूंक ना?

kk. भौशीक सुनावणी चालू आसात तें सोडून एम.पी.टी.चे आनीक कसलेय नियोजीत प्रकल्प आसात?

ll. प्र.प्र.न आमचे इतलेच प्रकल्प आसात अशी जाप दिली. विरोधकान सांगलें, एम.पी.टी.न 'वास्को खाडींत पी.पी.पी.चेर आदारीत द्रव कार्गो बर्थाचो विकास' ह्या माथाळ्या खाला एका नियोजीत

प्रकल्पा खातीर आर.एफ.क्यू. निविदा उजवाडायल्या. तेन्ना प्र.प्र. न सांगलें हो नियोजीत प्रकल्प न्हय तर फकत आर.एफ.क्यू. पावंड्या वयलो प्रकल्प आसा.

mm. विरोधकान सांगलें ह्या प्रकल्पाचें मोल 140 कोटी आसा आनी निविदा भेटोवपाची निमणी तारीख जूनांत आसा. हो प्रकल्प खारीवाडा दर्या वाठारांत येवजला आनी ताका लागून नुस्तेमारी आनी थळाव्या नुस्तेकारांचीं घरां नश्ट जातलीं. तीन प्रकल्पांक लागून जावपी पर्यावरण नाशांतय ह्या प्रकल्पाक लागून भर पडटली.

nn. हे सुनावणेंत एम.पी.टी. अध्यक्षांक फटी मारता.

oo. 22-10-2015 च्या फोटवा वेल्यान हो वेळ मेरेन ड्रेजिंग चलतालें आनी खर्च वांटावपाचे नदरेन वाटेर गाळ रकयताले तें दिश्टी पडटा.

pp. फोटो 3 भितर धातूमळ मर्दीच रकयल्लो दिश्टी पडटा. एम.पी.टी.च्या प्रतिनिधीन सांगलें, मेंटेनन्स ड्रेजिंग 3-10-2015 दिसा पुराय जालें आनी कॅपिटल ड्रेजिंग 31-05-2016 दिसा बंद जालें.

qq. विरोधकान गाळ रकयतनाचे फोटो दाखयले.

rr. फोटो 4 भितर तांणी ड्रेजर वापरिल्ल्याचे दाखयलें.

ss. फोटो 7,8 भितर ड्रेजर दिश्टी पडटा.

tt. फोटो 10,12 एम.पी.टी. बर्थ 4 आनी 5 मुखार 23-03-2016 दिसा ड्रेज करतना दिश्टी पडटा. ताका लागून जाल्ली खदुळसाण दिश्टी पडटा.

uu. कंपनीच्या प्रतिनिधीन सांगलें कॅपिटल ड्रेजिंग सगळ्याच वाठारांत करतात, ते म्हणल्यार इनर सर्कल, आवटर सर्कल आदी.

vv. विरोधकान ड्रेजिंग बर्था लागी पूर्वे कडल्यान ड्रेजिंग करतात आनीक खंयच न्हय अशें सांगून एक फोटो दाखयलो.

ww. तांणी विचारलें, ऑक्टोबर म्हयन्यांत कसलेंय ड्रेजिंग चलिल्लें? कंपनीच्या प्रतिनिधीन ना अशी जाप दिली.

xx. तांणी सांगलें ड्रेजिंग चालू आशिल्लें.

yy. कंपनीच्या प्रतिनिधीन आमी जहाजांचीं / ट्रान्स-जहाजांचीं नांवां बरोवन दितले म्हूण सांगलें.

zz. झुवारी खाडी / न्हंयेच्या गाळाचो संपूर्ण अभ्यास प.प्र.त. भितर करूंक ना.

aaa. फोटो/चित्र 28 भितर गाळ सुकते वटेन वतना दिश्टी पडटा. खारीवाडा आनी सांकवाळ खाडींत न्हंयेंतल्यान विस्थापीत जावपी गाळा वेल्यान दर्या कडल्यान येवपी गाळ दिश्टी पडटा.

bbb. प.प्र.त.च्या चित्र 4.1 चो फोटो खरो न्हय. चॅनल सोडून पुराय झुवारी खाडींत सांठिल्लो गाळ फकत 0.04 मी दाखयला. गाळ सांठवण / धूप झुवारी कांठा वयल्यान जाता आशिल्ल्यान तें अशक्य आसा.

ccc. सी.डब्लू.पी.आर.एस. न केल्लो अभ्यास हायड्रोडायनामिक्साचो आसा, अशें कंपनीच्या प्रतिनिधीन सांगलें.

ddd. आनी प्रवेश चॅनलाचें रुंदीकरण आनी हायड्रोडायनामिक्स 2015 आनी 2016त सारकेंच उरतलें.

eee. सी.डब्लू.पी.आर.एस.क एक नकली अहवाल तयार करपाक 10 लाख रुपया फारीक केल्यात. विलो सुवात थारावपाचें स्वातंत्र्य तांकां दिवंक ना. सिमुलेशन प्रतिमां वेल्यान विलो सुवातो दाखोवंक नात, हें सिद्ध जाता.

fff. कोचीच्या वल्लारपदम टर्मिनलाचो अभ्यास डॉ. मेनन हांणी केला आनी निश्कर्शांत ड्रेजिंगाक लागून उदकाचें क्षारिकरण जाता आनी बांयो संदुशीत जातात अशें म्हणलां. सी.डब्लू.पी.आर.एस.न वास्कोंत हो अभ्यास करूंक ना.

ggg. लिक्विफॅक्शनाचो अभ्यास (न्हंयेच्या तळाखाला निबर स्तरांचो संचय) करूंक ना. गोंयांत भूंयकांप जाता आशिल्ल्यान आनी सडा हांगा जमनीची धूप जाता आशिल्ल्यान तो गरजेचो आशिल्लो

hhh. गों.रा.प्र.नि.मं. आनी प्र.प्र.न उदकाचे नमुने तपाशिल्ले? असो प्रस्न तांणी केलो. एम.पी.टी.न जाप दिली, 5 कि.मी. क्षेत्रा भितर उदक तपासणेच्यो 7 सुवातो आसात. पुर्वे कडेन अशे तरेचो अभ्यास करूंक ना म्हूण तांणी विरोध कलो.

iii. क्रमांक 28 चो फोटो दाखोवन बार्ज दुरुस्ती चलिल्ल्या सुवातेर उदकाच्या गुणवत्तेचो अभ्यास करूंक ना हें सांगलें.

jjj. एम.पी.टी.न अभ्यास करूंक ना ताका लागून संवेदनशील परिस्थितिकी नश्ट जातली.

kkk. कॅपसायज जहाजां खातीर ड्रेजिंग करतले? एम.पी.टी.न सांगलें कार्गो हाताळणी आनी क्रूज (जल सफरी) व्हडा प्रमाणाचेर जातल्यो.

lll. गोंयचे अर्थवेवस्थेक फायदो आसून लेगीत एम.पी.टी.क जलसफरीच्यो बोटी नाकात.

mmm. क्रूज जहाजां कडल्यान दर दिसा सुमार 5 लाख रुपया बंदराची फी घेतात. जाल्यार बार्जी कडल्यान सुमार 15 लाख रुपया घेतात.

nnn. क्रूज बोटी नितळ आसतात, पर्यावरण अनुकूल आसतात आनी देखून एम.पी.टी.न कोळसो बंद करून फकत क्रूज बोटी चलोवपाक जाय.

ooo. संवसारीक पर्यटन थळां दर दिसाक कमीत ते रुपया 2,00,000 जोडटात.

ppp. क्रूज बोटी आनी कोळसो/घातक कार्गो हाताळणी हांचो तुळात्मक अभ्यास करूंक ना.

qqq. ड्रेज करपाचे जागेंत टायर, धातू आशिल्ल्याचो उल्लेख करपी दोन निविदा तांणी दाखयल्यो.

rrr. एक चॅनल खोल खणपाच्या आदर्श सिमुलेशनाचो एक विडियो तांणी दाखयलो. काल श्री. अभिजीत जें उलयलो ताका ती सीडी जोडची.

sss. ह्या प्रकल्पाचो खोलायेन अभ्यास जावंक जाय म्हूण तांणी सांगलें.

**2. श्री. कायतान फर्नांडीस, खारीवाडा, वास्को**

a. हें ड्रेजिंग कोणा खातीर चल्लां? ताचो नुस्तेकारांक फायदो ना. फकत प्रकल्प प्रस्तावकाक फायदो आसा, जो भायलो आसा, अशें मत तांणी मांडलें. कोळश्याक लागून नुस्तेकारांची जीण त्रासांत पडल्या. ड्रेजिंग केरळांत व्हरचें, अशीं सुचोवणी तांणी केली.

3. **श्री. पाश्कोल डिसोजा**
   a. आपूण एक परंपरीक नुस्तेकार आसा. एम.पी.टी.च्या उपक्रमांक लागून नुस्तेकारांचें जिवीत नश्ट जातलें. देखून तांणी ड्रेजिंगाक पुराय तरेन विरोध उक्तायलो.
   b. आपूण वास्कोचो नागरीक आसां आनी वास्कोकारांचें जिवीत नश्ट जायत चल्लां.
   c. नुस्तेकारांचे परवानगे बगर बंदराचेर उपक्रम करपाक मेळनात. एम.पी.टी.ची कोळसो हाताळणी आनी ड्रेजिंग हांकां लागून लोकांची पिडणूक जाता
   d. एम.पी.टी. न नुस्तेकार आनी कर्मचाऱ्यांची फटवणूक केल्या.
   e. एम.पी.टी.चे कोळसो हाताळणेक लागून जावपी त्रास फकत वास्कोकारूच जाणात.
   f. वास्कोकारांचे भलायकेचेर कोळसो हाताळणेक लागून विपरीत परिणाम जाल्यात.

4. **श्री. बर्नार्ड मार्टिन्स, वास्को**
   a. आपूण एक परंपरीक नुस्तेकार, आपलो वेवसाय आनी आपलें जिवीत ह्या प्रकल्पाक लागून नश्ट जाता अशें तांणी सांगलें. गोंय सरकारान थळाव्या नुस्तेकारां खातीर वावुरचें, अशी विनवणी तांणी केली. थळाव्या लोकांची पोट भरपाचीं साधनां नश्ट करपाक ही कंपनी सोदता, अशें तांणी म्हणलें. सुनावणेक प्रस्तावकान उदक लेगीत दिवंक ना, हाचेर तांणी शीण काडलो. थळाव्या लोकांक एम.पी.टी.न कसलोच लाब दिवंक ना. सरकारा कडेन एम.पी.टी.न हात मेळोवणी केल्या आनी ह्या बंदरांत थळाव्यांक खंयच रोजगार मेळनात. सगळे रोजगार भायल्या लोकांक मेळटात, अशें मत तांणी मांडलें.

5. **श्री. जुजे रॉड्रिगीश, वास्को**
   a. आपूण थळावो नुस्तेकार. नुस्तेमारीचेरूच जगता आनी देखून ह्या प्रकल्पाक लागून आपलें पोट भरपाचें साधन नश्ट जाता. कोळश्याच्या प्रदुशणाक लागून नुस्त्याचेर खूब परिणाम जाता. शॅलफीश म्हणल्यार कवचधारी नुस्त्याचें उत्पादन उणें जालां. हाका फकत ड्रेजिंग कारण आसा, अशें तांणी म्हणलें आनी ड्रेजिंगाची खरेंच गरज आसा? म्हूण प्रस्न विचारलो. थळावे तरणाटे बेकार आनी भायल्यांक मात रोजगार अशी स्थिती ह्या प्रकल्पाक लागून पळोवंक मेळटा. ड्रेजिंगाक लागून नुस्तेकारांचीं घरां मोडटलीं. एम.पी.टी. न ड्रेजिंगाचो प्रकल्प हातांत घेवचो न्ही, अशी सुचोवणी तांणी केली.

6. **श्री. सुरेश बर्वे, वाडें, वास्को**
   a. आपूण तोंडाक मास्क बांदून आयलां आनी पॅनला वयले लोक आपणाक जाप दितले, तेन्नाच आपून मास्क काडटलों, अशें तांणी म्हणलें.
   b. आपणें फकत सुनावण्यो घेवन प.रा.ह.ब.मं.क अहवाल धाडपाक जाय, 6.6 कलमा प्रमाण लोकांच्यो कागाळी आपूण नोंदयतां, अशें जिल्ल्याधिकाऱ्यान ताका सांगलें.

c. हो प.प्र.त.अहवाल आपूण कोंकणी भाशेंत विनंती करून लेगीत आपल्याक मेळुंना म्हूण सुरेश बर्वेन शीण काडलो.

d. अहवाला बगर हे सुनावणेंत आपल्याक मतां मांडपाक मेळनात.

e. प्रकल्प कार्यकारी सारांशाची कोंकणी प्रत ताका अध्यक्षांनी दिली. भौशीक सुनावणेचो वेवस्थापक कोण? असो प्रस्न विचारतकीच जिल्ल्याधिकारान आपूण अशें सांगलें.

f. हे सुवातेचेर कोयराची एक लेगीत पेटी ना आनी स्वच्छ अभियाना विशीं आमी उलयतात, हें ते मोहिमेचें उल्लंघन आसा.

g. काल रातीं 11:45 वरांचेर सुनावणी कशी आनी कित्या खातीर रद्द केली? अशें विचारून अध्यक्षांनी जर ती ध्वनी क्षेपकाच्या कायद्या प्रमाण बंद केल्ली आसत जाल्यार ती रातीं 10 वरांचेर बंद जावपाक जाय आशिल्ली, अशें मत मांडलें.

h. प्रस्तावकान आतां मेरेन कितली झाडां लायल्यात? दर घरा खातीर आतां मेरेन धा झाडां लावपाक जाय आशिल्लीं असो सरकारी कायदो आसतना हें तांणी करूंक ना.

i. अध्यक्ष फकत भौसाकूच हरकती घेता. प्रस्तावकाक कित्याक हरकती घेना? असो प्रस्न तांणी विचारलो. उपरांत तांणी एम.पी.टी.च्या प्रतिनिधींक वळख करपाक सांगली. श्री. डी. डी. अंबे, कार्यकारी अभियंते, श्री. जी.आर. जिरगे, कार्यकारी अभियंते, डॉ. एस.के. त्यागी, वॅपकोसाचें मुखेल विज्ञानीक, श्री. एन.पी.एस. वर्दे, एम.पी.टी.चे सल्लागार आनी डॉ. अरुण कुमार हे बांयांचे जाणकार हांणी आपली वळख करून दिली.

j. वास्कोचे भुंयेचे गुणधर्म सगळ्यांक खबर आसात? ह्या प्रस्नाक जाप ना अशी मेळ्ळी.

k. ड्रेजिंगाचो वास्कोचेर कितें परिणाम जातलो? हाचो कितें अभ्यास केला? असोय प्रस्न श्री. बर्वे हांणी विचारलो.

l. वास्को म्हणल्यार एक जुंवो. ड्रेजिंगाक लागून वयलो फातराचो स्तर फोडून काडटले, ताका लागून खूब व्हडा प्रमाणाचेर लँडस्लायड घडटले. जमीन व्हडा प्रमाणाचेर कोंसळटली. बॅट आयलँड आनी अंजली जुंव्याक लोक धर्मीक कामांक लागून भेटी दितात, तेय धोक्यांत आयल्यात.

m. ड्रेजिंगाक लागून वास्को शार बुडटलें. ड्रेजिंगा जाग्यार आर.ओ. प्रकल्प घालचो.

n. एम.पी.टी. अधिकाऱ्यां कडेन बंदर चलोवपाची परवानगी मागली. प्र.प्र.क एम.पी.टी. उतराचें पुराय रूप विचारलें.

o. आपल्या प्रस्नाक जापो दिवच्यो अशी विनंती तांणी केली.

p. एम.पी.टी.न बर्थ लिजार कसो दिवं येता? बर्थ लिजार दिवपाच्या उपक्रमाक ती जमीन मुरगांव कोमुनिदादींत पडटा म्हूण आपूण विरोध करतां. एम.पी.टी. ही भ्रश्ट कंपनी आसा ताची नोंद खबरापत्रांनी घेवची. ह्या लिजाचो कार्यकाळ कितलो? आनी कितले खोलाये मेरेन खोदकाम करतले तें सांगचें. ड्रेजिंग सकयल वता तितलीं हांगाचीं घरां कोंसळटलीं. उदका प्रदुशणाचेर गों.रा.प्र.नि.मं.चो कितें अभ्यास आसा आनी गों.रा.प्र.नि.मं.त हो प्रस्न आसपावता काय ना? असो प्रस्न तांणी विचारलो. सांडपाणी दर्यांत सोदतात हें मंडळाक खबर आसा? वास्कोंत एस.टी.पी. प्लांट घालपाक

एम.पी.टी.क परवानगी कोणें दिली? सरकारान एम.पी.टी.क कितलीं वर्सां जमीन लिजाचेर दिल्या? ही सुनावणी बळजबरीन घडोवन हाडल्या आनी एकाच प्रकल्पा खातीर तीन सुनावण्यो कंपनीन घडोवन हाडल्यात. सरकारी अधिकाऱ्यांक लोकांनी फारीक केल्ल्या करांतल्यान पगार मेळटा. पूण ते तांचे खातीर वावुरनात. आपूण सरकारी अधिकाऱ्यांक विरोध करतां.

q. कोळसो हाताळणेक आनी ड्रेजिण्गाक पुराय विरोध केलो. मंजुरी दिल्यार लेगीत विरोध करतलों, अशें सांगलें.

7. **श्रीमती पूजा मित्रा, पर्रा**

a. तांणी ग्रान्ड आयलँडा विशीं एक व्हिडियो सादरीकरण करपाक परवानगी मागली. आपूण डॉल्फीन संवर्धना खातीर वावुरतां अशें तांणी सांगलें. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून दर्यांतली जैव-विविधताय काबार जातली. तिका प्रकल्पा विशीं भंय निर्माण जाल्लो आसा.

b. ह्या जुव्यांचेर आशिल्ल्या कोरल रिफांचो उल्लेख ह्या अहवालांत केला.

c. एन.आय.ओ.न ह्या वाठाराक कोरल रिफ वाठार म्हूण जाहीर केला. तो आतां संकटांत सांपडटलो आनी ड्रेजिंगाक लागून कोरल नश्ट जातले. कोरल रिफाची राखण करपाची आसल्यार ड्रेजिंगाक मान्यताय दिवन उपकरना.

d. डॉल्फिना सयत हेर समुद्री जिणेक ड्रेजिंगाचो धोको ना, अशें अहवालांत म्हणलां, तें फट. समुद्री जाणकारूच ह्या विशयांत आपलें मत दिवपाक शकतात. मात तश्या जाणकारांक एम.पी.टी.न आपोवंक ना.

e. गोंयच्या पर्यटनाचेर ड्रेजिंगाचो व्हड परिणाम जातलो.

f. हम्प बॅक डॉल्फीन ही जात वन्यजीव संरक्षीत जात आसा. तिची राखण जावपाकूच जाय.

g. गोंय पांचवेचार करपा खातीर आमी वावुरपाक जाय अशेंय मत तांणी मांडलें.

h. जैव-विविधतायेचे स्तर ह्या वाठारांत उणें आसा, अशें मत कंपनीन आपल्या अहवालांत मांडला, अशें तांणी नदरेक हाडून दिलें. ह्या वाठारांत दुर्मीळ आनी धोको आशिल्ल्या नुस्त्याच्यो कितल्योश्योच जाती सांपडल्यात, अशे तांणी सांगलें.

i. संरक्षीत 10 कि.मी. च्या वाठारांत तळाकडलो भाग काडून उडयल्यार पर्यावरणाचो, खासा करून बॅन्थीक जिणेचो पुराय रितीन नाश जातलो.

j. ह्या वाठारांत डॉल्फीन सतत सांपडटात. 4.50 कि.मी. चेर लेगीत डॉल्फीन सांपडटात. पूण ताचो अभ्यास कंपनीन ह्या अहवालांत करूंक ना. डॉल्फीन ही संवसारान राखण केल्ली मोनजात आनी ताची राखण हें आमचें कर्तव्य आसा.

k. ह्या प्रकल्पाक लागून समुद्री परिस्थितिकीचेर खर परिणाम जातलो अशें मत तांणी उक्तायलें.

l. ड्रेजिंगा उपरांत समुद्री जीण परतून आसा ते अवस्थेंत येवचीना देखून तिचें कायमचें नुकसान जातलें.

m. आमकां प्रगती जाय, उदरगत जाय पूण ती जैव विविधतायेच्या कुस्तार नाका.

n. गोंयान एक बरी बर्थ वेवस्था आपणावची, हाचे खातीर एम.पी.टी.न पावलां मारचीं अशें तांणी म्हणलें.
o. सरकारान आपल्या लोकांक समजूंक जाय. भौ.सु.चे सुवातेर बॅरिकेड कित्याक घातल्यात?
p. नितळ पर्यावरणा खातीर लोकांक झगडपाक पडपाक जायना, अशेंय मत तांणी मांडलें.
q. स्वच्च आन प्रदुशण मुक्त पर्यावरणा खातीर राज्य सरकारान लोकांक भौ.सु.त वांटो घेवंक फोर्सार करूंक जायना.
r. नुस्त्या भितरल्या मायक्रो प्लास्टिका विशीं मंडळा कडल्यान तांणी स्पश्टीकरण मागिल्लें आसा.

8. **सिरील फर्नांडीस, वास्को**

a. वास्कोकारांक एम.पी.टी. दुय्यम दिसता आनी पयलो अधिकार जो आसा तो नुस्तेकारांचो आसा. देखून हांगा कंपनीन वास्कोकारांक प्राधान्य दिवपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. एम.पी.टी. पुर्तुगेज काळा वयली कंपनी. भारत सरकार आयले उपरांत ती भारत सरकाराच्या मालकीची जाल्या. देखून केंद्रीय कायदे वापरून एम.पी.टी. गोंयचेर आनी गोंयच्या संसाधनांचेर शेक गाजोवंक सोदता अशेंय मत ताणी मांडलें.
b. तांणी एम.पी.टी.च्या प्रकल्पाक विरोध करपी पावरपॉयंट सादरीकरण केलें.
c. एम.पी.टी.न 3 बर्थाच्या आदारान 1883 वर्सा ड्रेजिंगाच्या कामांक सुरवात केल्ली (120 वर्सां आदीं). एम.पी.टी.च्या फाटल्यान एक संरक्षीत किल्लो आसा तें कंपनीन सांगूंक ना.
d. तेन्ना सावन कशे कशे बर्थ वाडत 11 जाल्यात ताचो इतिहास तांणी आपल्या सादरीकरणांतल्यान मांडलो.
e. पर्यावरण, सामाजीक स्थिती आनी जैव-विविधताय हांचे विशीं एम.पी.टी.न सांगूंक जाय. कसलेच तरेचो अभ्यास तांणी ह्या अहवालांत करूंक ना, असो शीण तांणी काडलो.
f. एम.पी.टी.चो आतां खूब विस्तार जाला. ती आपले बर्थ खाजगी कंपन्यांक दिता. त्या विस्ताराचो गोंयाक लाब जायना.
g. 2006 वर्साच्या एम.पी.टी.च्या नकाशे/आरचणुकेंत थाळाव्या लोकांचीं घरां दाखोवंक ना. ई.ए.सी.क काळखांत दवरून प्रकल्पाक मान्यताय मेळचीं म्हूण वायट उद्देशांतल्यान केलां.
h. एम.पी.टी. आपखोशयेन न्हय तर एन.जी.टी.क लागून ही सुनावणी घेवपाक फुडे सरल्या असोय आरोप तांणी केलो.
i. 60% ड्रेजिंग जर एम.पी.टी.न मान्यताय घेनासतना पयलींच केल्लें आसत जाल्यार ती आतां इ.सी. कित्याक घेवपाक सोदता? असो प्रस्न तांणी केलो.
j. एम.पी.टी.न पयलीं जमीन मुळावें स्थितींत हाडची आनी मागीर ई.सी. खातीर अर्ज करचो आनी मागीर भौ.सु. घेवची.
k. कितलें ज्वलनशील इंधन कंपनी वास्कोंत हाडटा ताचो हिशेब कंपनीन दिवंक ना.

l. एम.पी.टी. सुरवेक 3 द.ल.ट.प्र.व. कोळसो हाताळणी केली. कोळसो ही ज्वलनशील सामुग्री आनी ती ज्वलनशील द्रव सामुग्रे लागीं दवरूंक फावना.  आतां कंपनी तांतूत 400% वाड करूंक सोदता. हाका लागून लोकांक आनी पर्यावरणाक धोको निर्माण जातलो.

m. 51 द.ल. कोळसो ते हाताळूंक सोदतात. सुप्रीम कोर्टाची परवानगी मेळटकच गोंय सरकार मायनिंगाची क्षमताय 20 वेल्यान 40 द.ल.ट.चेर व्हरूंक सोदता.

n. सद्याक एम.पी.टी. वेपारा खातीर 40 द.ल.ट. लोह हाताळटा. जी फुडाराक 100 द.ल.ट जातली.

o. आतां सरकार आनी एम.पी.टी. दोगांयनी एम.पी.टी.ची एकूण धारण क्षमताय थारोवपाची गरज आसा. ताची जाप तांणी गों.रा.प्र.नि.मं. कडल्यान मागली. मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी आमी हाचेर आजून अभ्यास करूंक ना अशें सांगलें.

p. कोळश्याची येरादारी दर वर्सा वाडत आसा. एम.पी.टी. ब्रेकवॉटराचे पश्चिमे कडेन लेगीत वाडूंक सोदता, ही गजाल तिणें अहवालांत लिपोवन दवरल्या, असोय आरोप तांणी केलो.

q. बायणा खाडी वटेन आनी वास्को खाडी वटेन तशेंच ब्रेक वॉटराच्या पश्चीमे कडेन विस्तार करुंक सोदतात अशें तांणी सांगलें. थळाव्या नुस्तेकारांक ते आडोवपाक सोदतात तांकां हालोवपाक सोदतात आनी नुस्तेमारी केंद्राक विस्तापीत करूंक सोदतात असोय आरोप तांणी केलो.

r. बायणा खाडी वटेन आनी वास्को खाडी वटेन तशेंच ब्रेकवॉटराचे पश्चिमे कडेन कंपनी विस्तार करुंक सोदता, अशें तांणी सांगलें. थळाव्या नुस्तेकारांक कंपनी आडावपाक सोदता, तांकां हालोवपाक सोदता आनी नुस्तेमारी केंद्राक विस्थापीत करूंक सोदता, असोय आरोप तांणी केलो.

s. गोंय हे एक पर्यटन स्थळ. तांतूतल्यान गोंयांक लाब मेळटा.

t. वास्कोच्या लोकांची भलायकी कशेच तरेन इबाडूंक जायना.

u. वास्को खाडी खातीर तांची एक गुपीत येवजण आसा अशें बी मत तांणी मांडलें.

v. कोळसो जो आसा तो आतां सिमेंट्रीत हाडूंक सोदतात.

w. थळाव्या राजकारणी आनी केंद्र सरकाराच्या तेंक्यान एम.पी.टी. आतां फुडे सरिल्ली आसा अशें मत तांणी मांडलें.

x. मुरगांव नगरपालिकेन मुरगांव शारांत कोळसो हाताळणीचेर पुराय रितीन बंदी घातल्या हें तांणे नदरेक हाडून दिलें.

y. चिखलीची खाडी म्हणल्यार दर्याची देग अहवालांत मात तिचो उल्लेख लेगीत ना अशें मत तांणी मांडलें.

z. डॉ. वर्दे ह्या एम.पी.टी.च्या सल्लागारान केल्ले भुमिकेक तांणी विरोध केलो.

aa. तांणी मंडळाक सारकी माहिती दिवंक ना ते खातीर तांचो निशेद केलो. मंडळाक ह्या वाठाराच्या जैवविवीधताये विशीं कांयच खबर ना अशेंय मत तांणी मांडला.

bb. चिखली खाडी आनी जैव-विविधताय ही देवाची देन आसा. चिखली खाडीचो उल्लेख प.प्र.त. अहवालांत जाणून बुजून करूंक ना. 5 कि.मी. आभ्यास वाठारांत आशिल्ले चिकली खाडींत जेंव-विविधतायेचो आसपाव जाता.

cc. चिखलेची जैव-विवीधताय राखण  करपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें.

dd. संवसाधन तांणी राखून दवरपाक जाय अशें तांणी म्हणले.

ee. विंगड विंगड विंडोव पॅन ऑयस्टरांच्यो जाती हांगा मेळिल्ल्यो आसात.

ff. वॅपकोस आनी एम.पी.टी.न एन.आय.ओ.क ह्या संबंदान कित्याक संपर्क करूंक ना.

gg. एन.आय.ओ.चे अभ्यासक डॉ. बबन इंगोळेन केल्ल्या अभ्यासा प्रमाण हांगा विंडो पेन ऑयस्टरा वांगडाच हेर कितलेशेचच समुद्री जीव आसात (देखीक तिसऱ्यो), जे ह्या वाठारांत रावपी सुमार घराब्यांचे  येणावळीचे स्रोत आसात. चिखली खाडींत सुमार 300 थळावे आदिवाशी आनी परंपरीक नुस्तेकार रावतात. तशेंच चिखली गांवांत रावपी लोकांच्या अन्नाचें तें स्रोत आसा. हांचो उल्लेख बंदरांचेर आदारीत एम.ओ.ई.एफ चे मार्गदर्शक पुस्तिकेंत केला.

hh. मेगालिथीक गुंफो हांगा आसात. चिखले हांगा हें जें दायज आसा, ताचे बदल अहवालांत कांयच सांगूंक ना, अशें बी मत तांणी मांडलें.

ii. चिखलेंत जीं वेग-वेगळी सुकणीं आनी किटक मेळटात तांचोय बी अभ्यास ह्या अहवालांत जावंक ना, अशें तांणी सांगलें.

jj. तशेंच ह्या वाठारांतल्या वनस्पतींचो आनी तांचेर ह्या प्रकल्पाचो जावपी प्रभावाचो अभ्यास लेगीत ह्या अहवालांत ना.

kk. 15 कि.मी. वाठाराचो अभ्यास करपाक जाय आशिल्लो, तो कंपनी कित्याक करूंक ना? 15 कि.मी.च्या वाठारांत कितलेशेच आदिवाशी लोक रावतात. पूण तांचेर जावपी प्रभावाचो अहवालांत कसलेच तरेचो अभ्यास जावंक ना.

ll. मंडळान ह्या प्रकल्पाच्या समुद्री जिणेचेर जावपी प्रभावाचो पर्यावरण भौशीक सुनावणी घेवचे पयलींच अभ्यास करूंक जाय आशिल्लो, अशें मत तांणी मांडिल्लें आसा

mm. ओल्ड गोवा ही एक संवसारीक दायज वास्तू आसा. ही इतिहासीक चर्च प्रकल्प सुवातेच्या 15 कि.मी. वाठारांत आसा. पूण तिचेर जावपी परिणामांचो कसलोच उल्लेख ह्या अहवालांत येवंक ना.

nn. तशेंच एंगलिकन चर्च 150 वर्सां आदली आसा. तिचो उल्लेख लेगीत तांणी ह्या प्रकल्पांत करूंक ना, अशें मत तांणी मांडलें.

oo. कंपनीक तेंकून आशिल्ल्या किल्ल्याचो आनी शाळेचो कंपनीन ह्या अहवालांत कित्याक उल्लेख करूंक ना?

pp. तेच तरेन संरक्षीत आस्थापनां, गोंय विमानतळ, शाळा, हॉस्पिटलां, धर्मीक थळां हांचोय उल्लेख ह्या अहवालांत ना, अशें तांणी सांगलें.

qq. डॉ. मास्कारेन्हास (नामनेचे शास्त्रज्ञ) हांणी म्हणलां की वास्कोची खाडी कोंसळपाक पावल्या, पूण जमनीची धूप जावपाचो अभ्यास करूंक ना.

rr. हो प्रकल्प फुडें गेल्यार झुवारी पूल धरून सद्याचे क्षेत्र लेगीत कोंसळटलें.

ss. कोलवा ते कळंगूट वाठार ह्यो अभ्यास क्षेत्रांत आसपावतात, पूण तांचो उल्लेख लेगीत ह्या अहवालांत करूंक ना.

tt. इतलेंच न्हय तर एम.पी.टी. आपल्या अधिकाऱ्यांच्या हावजींग सुविधांचो उल्लेख लेगीत ह्या प्रकल्पांत करूंक ना अशें मत तांणी मांडलां, जाका लागून प.प्र.त.च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन जालां.

uu. ऑयल आनी नाफ्टा केंद्रांचो उल्लेख ना. अमोनिया सांठवण टांकयांचो उल्लेख ना, जे ह्या प्रकल्पा पासून फकत 50 कि.मी. भितर आसात आनी तांकां केन्नाय उजो लागू येता, अशी स्थिती आसा.

vv. उजो लागल्यार ते लोकांक कशे तरेन भायर काडटले? असो प्रस्न अध्यक्षाक, जे दक्षीण गोंय आपत्ती वेवस्थेचे वांगडी सचिव आसात तांकां तांणी विचारलो. अध्यक्षांनी न्हयकारी जाप दिली.

ww.प.प्र.त. अहवालांत आदिवाशींचेर ह्या प्रकल्पाक लागून जावपी प्रभावा विशीं कांयच सांगूंक ना. 10% प्रकल्पाचो ह्या वाठारांतल्या अनुसुचीत जाती-जमातींचेर विपरीत परिणाम जातलो. तशेंच ह्या प्रकल्पाचो आदिवाशी लोकांच्या परंपरीक वेवसायाचेरूय जातलो.

xx. तशेंच 50 हजारा परस चड लोक प्रकल्पाच्या सामकें लागीं दाटायेन रावपी लोकसंख्येचो लेगीत तांणी अभ्यास करूंक ना, अशें तांणी सांगलें.

yy. हे तीन वेग-वेगळे प्रकल्प न्हय, तर हे तिनूय एकूच प्रकल्प. फकत पर्यावरणाचे चाळणेंतल्यान सुटपाचे नदरेन एम.पी.टी.न ते एक न्हय तर वेगळे म्हूण हेतू पुरस्सरणान दाखयल्यात. एम.पी.टी.च्या बिजनेस प्लॅनांत जायत्या प्रकल्पांचो उल्लेख आसा. (हॅलक्रो / अर्नेस्ट अँड यंग, 2007 अहवाल). हेर दोनूय प्रकल्प, रेल्वेचें दुपेटीकरण (हॉस्पेट ते वास्को) आनी महामार्ग रुंदीकरण आनी चौपदरीकरण (रा.मा. 4ए, 17, 17बी.) हे एकामेकांक जोडिल्ले आसात. हेर दोनूय प्रकल्पांक केंद्र सरकार अर्थीक पालव दितलें. ह्याय गजालींचो विचार करून तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत अभ्यास जावपाची गरज आसा.

zz. ह्या प्रकल्पाक लागून पुराय धरून दोन लाख लोक बादीत आसात, अशे तांणी म्हणलां, पूण पुराय प्रकल्पाक लागून सुमार 4.5 लाख लोकांक ह्या प्रकल्पाची बादा जातली, अशें मत तांणी उक्तायले.

aaa. 2007 वर्साच्या उच्च न्यायालयान नेरीक कोळसो प्रदुशणाचो अभ्यास करपाचो आदेश दिलो. नेरीच्या मार्गदर्शक तत्वांक एम.पी.टी.न पाळो दिवंक ना. अर्नेस्ट आनी यंग हांणी तयार केल्ल्या बायणाच्या खाडी अभ्यासाचो ह्या अभ्यासांत कसलेच तरेचो उल्लेख केल्लो ना.

bbb. मंडळान 2010 वर्सा जो आदेश दिल्लो, एम.पी.टी.न तो आदेश लेगीत पाळिल्लो ना.

ccc. गों.रा.प्र.नि.मं.न जारी केल्ल्या आदेशांची कागदपत्रां तांणी मंडळाक दिवपाक सांगलीं.

ddd. मंडळान 2011 वर्सा शेड बांदपाचो आनी कोळसो हाताळणीच्या यांत्रिकीकरणाचो आदेश एम.पी.टी.क दिल्लो. ताकाय कंपनीन पाळो दिल्लो ना.

eee. आयज मेरेन मंडळान जारी केल्ल्या सगळ्या नोटिसींचो तपशील तांणी मागलो.

fff. वास्को हे एका टायमा बॉम्बाचेर बशिल्लें आसा. एके वटेन ऑयल आसा, नाफ्ता आसा, अमोनिया आसा. दुसरे वटेन कोळसो आसा.

ggg. एम.पी.टी.ची कोळसो हाताळणी क्षमातय कितली? तशेंच काळश्याचे हाताळणेक लागून प्रदुशणचें स्तर कितलें आसतलें?

hhh. प्र.प्र. प.प्र.त. अहवालांत कोळश्याचे हाताळणेक लागून उजो लागूं येता म्हूण सांगलां. पूण आपत्ती वेवस्थापना विशीं कांयच सांगूंक ना. बंदरा वाठारा लागीं सुमार 1,70,000 कि.ली. पेट्रोल सांठोवन दवरलां, देखून हो एक गंभीर विशय आसा.

iii. लोकांचें जिवीत धोक्यांत घालपा खातीर आनी चुकीचो अहवाल हांगा दिल्ले खातीर पर्यावरणीय प्रभाव तपासणी अहवाल तयार करप्यांक अटक जावपाक जाय.

jjj. तांणी फटीचो प.प्र.त. अहवाल रद्द करपाची मागणी केली.

kkk. प.प्र.त. अहवालांत आसपाविल्ली माहिती फट आसा. देखून तांतूतल्यान चुकीची माहिती मेळटा.

lll. जाणकारांक आसपावन घेवन नवो प.प्र.त. अहवाल तयार करपाची गरज आसा.

mmm. एम.पी.टी.च्या हाताळणी क्षमतायेचो खोलायेन अभ्यास करपाची गरज आसा.

nnn. खोलायकरण आनी ड्रेजिंगे खातीर एम.पी.टी.न प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर केल्लो ई.सी. अर्ज कुशीन दवरूंक जाय.

ooo. तांणी पावर पॉयंट सादरीकरणाची सीडी आनी हार्डकॉपी दिली. आपणाक आयचे भौ.सु. पावर पॉयंट सादरीकरण करूंक दिल्ले खातीर तांणी अध्यक्षांचे उपकार मानले.

9. **श्री. रुपेश शिंक्रे.**

a. लोकांचीं मतां आयकले उपरांत लेगीत कंपनी हो प्रकल्प फुडें व्हरूंक सोदता काय म्हूण प्रस्न केलो.

b. ड्रेजिंग लोकांच्या व्यापक हिता खातीर अशें कंपनीन अहवालांत म्हळ्ळां तें कशें, तें कंपनीन पटोवन दिवचें अशें तांणी सांगलें.

c. ह्या प्रकल्पांक लागून लोकांचें हीत कशें जातलें?

d. हो प्रकल्प गोंयकारांच्या न्हय तर फकत खाजगी कंपनीच्या फायद्या खातीर ,अशें तांणी सांगलें.

e. 60% ड्रेजिंगाचो वावर परवानगी घेनासतना पुराय केला आनी आतां त्या कामाची पुर्व-परवानगी कंपनी घेवपाक सोदता, असो अरोप तांणी केलो. देखून एम.पी.टी.चेर कायदेशीर कारवाय करची अशें मत तांणी मांडलें.

f. दुपेटीकरण धरून हे तिनूय प्रकल्प गोंयाक काबार करपा खातीर आयल्यात. कॅपिटल ड्रेजिंग आनी मेंटेनन्स ड्रेजिंग हांचो अभ्यास तांणी केला? तांणी कंपनीक प्रस्न विचारलो.

g. तसो अभ्यास केला आनी जेन्ना सुरवेचे ड्रेजिंग केल्लें तेन्ना प.मं. मेळपाची आशिल्ली अशी जाप कंपनीन सांगलें.

h. एन.जी.टी.चो आदेश येतकीच तसो अभ्यास केल्ले कारणान ताची माहिती अहवालांत आसपावपाक मेळ्ळी ना अशें कंपनीन सांगलें.
i. जेन्ना एके सुवातेंत ड्रेज करून 14 कि.मी. पयस विलो सुवातेचेर ड्रेज केल्ले सामुग्रेचो विलो लायतले तेन्ना ताचो समुद्री जिणेचेर खर परिणाम जातलो.
j. साळ न्हंयेंत केल्ले ड्रेजिंगेचो समुद्री जिणेचेर विपरीत परिणाम जाला.
k. उदकाची खदुळसाण वाडची ना ह्या एम.पी.टी.च्या मता कडेन ताणें असहमती दाखयली.
l. नुस्तेमारीचेर ड्रेजिंगाचो परिणाम जातलो काय म्हूण विचारिल्ल्या प्रस्नाक कंपनीन हय अशी जाप दिली.
m. वास्कोकार ह्या प्रकल्पाक सदांच विरोध करतले.
n. एम.पी.टी.न हो प्रस्ताव सोडून दिवचो अशी मागणी रुपेश शिंक्रे हांणी केली.

10. **श्री. सावियो कुरैय**

a. ई.ए.सी.न जारी केल्ल्या अतिरिक्त सं.सं.चीं फकाणां ह्या प.प्र.त. अभ्यासांत केल्या. हातूंत नव्या सं.सं.चो विचारूच करूंक ना.
b. पर्यावरणीय स्थितीची पुर्तताय हाचेर एक स्वतंत्र पाठ आसा. पूण प.प्र.त. अहवालांत मात पान 1-13 चेर 1.10 हो एक परिच्छेदूच दिला. तांतूत प्र.प्र.न 17-10-16 तारखेक प.रा.ह.ब.मं.क बरयल्ले एक पत्र आसा. पूण ते फकत कॅपिटल ड्रेजिंगाच्या संबंदांतलेच आसा. अतिरिक्त सं.स. प्रमाण ई.ए.सी.क प्रमाणांकीत अहवालाची गरज आशिल्ली. तशेंच सगळ्या उपक्रमांच्या अतींच्या पुर्ततायेंची स्थिती जाय आशिल्ली. ती तशी दिवंक ना.
c. एके प्राधिकृत येंत्रणे वरवी भरती-सुकती नकाश्याचेर आरचना आराखडो दिवपाची गरज आशिल्ली. सं.सं. पुर्तताय I हांतूत हाका दिल्ली जाप परि. 5 क जोडिल्ली आशिल्ली. पूण मंडळाचे वेबसायटीचेर आशिल्ल्या प.प्र.त. अहवालांत परि. 5 दिश्टी पडना. तशेंच परि. 6 (प.प्र.त. पान क्र. 3-12) ची पुनरावृत्ती 3-14 पानांत केल्या. लोकांक घुस्पागोंदळांत उडोवपाक आनी माहिती लिपोवपाक हें केलां.
d. जी.सी.झेड.एम.ए.ची शिफारस कितें आशिल्ली?
e. एम.पी.टी.न सांगलें, नव्यान शिफारस घेवपा खातीर तांणी जी.सी.झेड.एम.ए. कडेन संपर्क सादला.
f. समुद्री जैव-विविधताय प्रभाव अहवाल आनी वेवस्थापन येवजण हांच्या आदारान सुक्ष्म, स्थूल आनी भव्य जैवीक घटकां कडेन कशे तरेन संबंद दवरतले? तांचो अभ्यास समुद्री अभ्यासांत जाणकार आशिल्ल्या एन.आय.ओ. वा हेर संस्थे वरवी जावपाक जाय. सं.सं. पुर्तताय II पाठ क्र. 5 आनी 6 भितर आयल्यात. पूण ह्या पाठांनी एन.आय.ओ. वा हेर पात्र संस्थेक हो अभ्यास दिल्ल्याचें एक उतर लेगीत पळोवंक मेळना. हाचे वयल्यान वॅपकोस स्वताक स्वघोशीत समुद्र विज्ञान जाणकार समजता असो जाता.
g. किनारपट्टीचेर जावपी प्रभावाचो अभ्यास केला? एम.पी.टी.न सांगलें पाठ 4च्या अनुभाग 4.15 भितर तो केला. सी.एस.आय.आर.- एन.आय.ओ. हांणी तीन म्हयन्याच्या काळांत केल्ल्या

अभ्यासाक तांणी अंतरीम अहवाल म्हणलां. हाचे वेल्यान हो अभ्यास पुराय जावंक ना हें सिद्ध जाता. तातूंत लेगीत किनारपट्टीची धूप जातली अशें म्हणलां. तशेंच तांतूत जायत्यो विसंगती आसात.

h. ड्रेजिंग प्रकल्पा खातीर प.मं. मेळोवपाची घाई प्र.प्र.क कित्याक जाल्या? एम.पी.टी.न जाप दितना, हो भाग पाठ 2 अनुभाग 2.7.4 भितर आयला अशें म्हणलें. ह्या भागांत फकत ड्रेजिंगाची पद्दत आनी प्रस्तर स्तरांचोच उल्लेख आयला. तांतूत खणिल्ल्या फातरांच्या विस्थापनाचो उल्लेख ना. तशेंच खणिल्ली माती किनारपट्टीक पोशक म्हूण वापरपाच्या वा बांदकामा खातीर वापरपाच्या पर्यायाचो उल्लेख येवंक ना.

i. आपत्ती वेवस्थापन येवजण आसा? जाप दिली, पाठ 7 भितर ती आयल्या. एम.पी.टी.न जी आपत्ती वेवस्थापन येवजण तयार केल्या ती भोवउदेशी कार्गो टर्मिनला खातीर आसा (पान क्र. 7.3). भौ.सु.त आशिल्ल्या प्रवेश चॅनलाच्या खोलायकरणाचो संदर्भ दिवंक ना. ह्या एकाच मुद्द्याचेर हो अहवाल आपली विस्वासार्हताय व्हगडायता.

j. प्रकल्पाच्या आड कोर्टांत केस आसा? जाप ना अशी दिली (परि. 7 - पाठ 1, अनुभाग 1.9). हांगा प्र.प्र.न सर्वोच्च न्यायालयांत पडून आशिल्ल्या केसीचो उल्लेख करूंक ना (नागरी याचिका क्र. 9955/2016). तिचेर जुलय 2017त सुनावणी जावपाची आसा.

k. कॅपिटल ड्रेजिंगाक लागून जावपी अचकीत बाह्या बदलांचो अभ्यास केल्लो ना. डॉ. आंतोनियो मास्कारेन्हास हांणी हे विशीं जी.सी.झेड.एम.ए.क अहवाल सादर केला.

l. ड्रेज केल्ले सामुग्रेचो विधायक उपेग लक्षांत घेवंक ना (किनारपट्टीक पोशक म्हूण वापरपाच्या वा बांदकामा खातीर वापरपाच्या).

m. हो प.प्र.त. अभ्यास म्हणल्यार एक फार्स आनी तो ताकतिकेन केला. फकत कॅपसायज बोटी येवच्यो म्हूण ड्रेजिंग करपाचो विचार केला. गोंयांक कोल हब आनी कोल कोरिडोर करपाक तांणी खर विरोध केलो.

11. **श्री. जुजे फिलीप डिसोझा**

a. आयचे सुनावणेक थळाव्या नुस्तेकारांनी येवन आपआपल्याचेर जावपी परिणाम हांगा सांगिल्ले आसात.

b. एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवंक नात.

c. ही सुनावणी पुराय रितीन फटींगपणाची आसा ती बंद करची. केंद्र सरकाराच्या दबावान ही सुनावणी घेतात, अशेंय तांणी सांगलें.

d. जोसेफ सिल्वेरान इलेक्शना पयलीं प्रस्तावीत येवजण्यांचो आदार घेवन लोकांक भुलोवपाचो प्रयत्न केलो.

e. गडकरीन बेकायदेशीर ड्रेजिंगाच्या वावराचे उक्तावण केलें. प्रकल्पाची परवानगी घेतले बगर वावर सुरू केलो. मतदारांक भंय घालपा खातीर हो प्रकल्प हाडला, अशें मत जुजे फिलीप डिसोझा हांणी मांडलें.

f. ड्रेजिंगा खातीर खारीवाड्या वयले लोक विस्थापीत जाल्यात.
g. 60% ड्रेजिंग परवानगे बगर कशे करूं येता? असो प्रस्न तांणी विचारलो.
h. सगळ्या वास्कोकारांक भायर घालपाची एम.पी.टी.ची येवजण आसा, अशेंय तांणी सांगलें.
i. फकत आपल्याच फायद्या खातीर कंपनी हो प्रकल्प चलयता. लोकांक ताचे पासून कांयच फायदो ना, अशें मत तांणी मांडलें.
j. एम.पी.टी.न आपल्या वावराक सुरवात करचे पयलीं वास्को नितळ आनी अप्रदुशीत आशिल्ले.
k. ही सुनावणी आयज हांगा चालू आसतना थळावो आमदार खारीवाड्या वयल्या लोकां मदीं फूट घालता.
l. एम.पी.टी.च्यो येवजण्यो खाजगी कंपनींच्या फायद्या खातीर आसात.
m. फकत खाजगी कंपन्यांनीच फायदो केला.
n. सुनावणेचो अध्यक्ष गोंयकार आशिल्ल्यान तो सारको आनी खरो अहवाल धाडटलो अशी आस्त तांणी परगटायली.
o. खारीवाड्याची राखण करपाची आयज गरज निर्माण जाल्ली आसा.
p. खारीवाड्यार आपलीं स्क्रॅप जहाजां डंप करपाचो अधिकार एम.पी.टी.क कोणे दिला? असोय प्रस्न तांणी विचारलो.
q. आपले प्रकल्प राबोवचे पयलीं एम.पी.टी.न थळाव्या लोकांक विस्वासांत घेवपाक जाय.
r. थळावो आमदार आनी नगराध्यक्ष हे सुनावणेक येवंक ना, जाल्यार ते देशा भायर आसात.
s. हांव खारिवाड्याच्या लोकांक त्रास काडूंक दिवचो ना.
t. वास्कोकार ह्या प्रकल्पाच्या विरोधांत रस्त्यार येतले आनी जर हो प्रकल्प हांगा राबयलो जाल्यार ताका विरोध करतले.
u. तांणी एम.पी.टी.च्या ड्रेजिंग चॅनलाक पुराय रितीन विरोध केलो.
v. 60% ड्रेजिंग जे बेकायदेशीरपणान कंपनीन केलां ताकाय बी लोकांचो विरोध आसा, अशे तांणी निमाणे कडेन मत मांडलें.

12. **श्री. कृष्णा साळकार**

a. चॅनल ड्रेज करपाच्या प्रकल्पाक तांणी पुराय रितीन विरोध केलो.
b. वास्कोकारांनी ह्या प्रकल्पा आड परिणामकारक आनी खर विरोध केला.
c. लोकांच्यो भावना केंद्र सरकारा मेरेन सारके तरेन पावोवच्यो, अशें मत तांणी मांडलें.
d. सरकारी अधिकाऱ्यांनी वास्कोकारांक तेंको दिवचो अशें मत तांणी मांडलें.
e. आपली धाकली चली अस्थमाक लागून दुयेंत आसा आनी तें दुयेंस कोळश्याच्या प्रदुशणाक लागून निर्माण जाल्लें आसा. सगळ्या भुरग्यांक अशे तरेचीं वेग-वेगळीं दुयेंसां कोळश्याच्या प्रदुशणाक लागून जातात, अशें तांणी म्हणलें.
f. कोळश्याचो फायदो फकत कॉर्पोरेटांक आसा, थळाव्या लोकांक न्हय.

g. जे लोक भायल्यान येवन वास्कोकारांक मजत आनी मार्गदर्शन करूंक तीन दीस हांगा आयले आनी माहिती दिली तांची तांणी तोखणाय केली.

13. **श्री. दिनेश डायस**

a. फॉर्म 1 आनी सारांश आहवालांत तशेंच प.प्र.त. अहवालांत कंपनीन वेग-वेगळ्या तरेची माहिती दिल्या. चॅनलाची लांबाय प्रत्येक अहवालांत वेग-वेगळी सांगल्या. एकेकडेन 3.5, एकेकडेन 4.8 जाल्यार दुसरे कडेन वेगळी, अशें मत तांणी मांडिल्लें आसा. खंयची लांबाय खरी? असो प्रस्न तांणी कंपनीच्या अधिकाऱ्यांक केलो.

b. सद्याच्या चॅनलाची लांबाय कितली आसा?

c. केपिटल ड्रेजिंग आनी 8-9 हांचे भितरले ड्रेजिंगे खातीर वेग-वेगळे कॉंट्रेक्टर कित्याक नेमल्यात, असोय प्रस्न तांणी कंपनीक केलो.

d. श्री. अंबे, कार्यकारी अभियंते, हांणी ही विंगड विंगड कंत्राटां आसात, देखून ताचो वेग-वेगळो विचार केला, अशें सांगलें.

e. फॉर्म 1 च्या परिच्छेद 2.1 भितर हे सगळे स्वतंत्र आसात आनी एकमेकांक जोडिल्ले ना अशे म्हणलां, ती एक व्हडली विसंगती, अशें तांणी म्हणलें.

f. फॉर्म 1 च्या परिच्छेद 1.1 भितर कॅपिटल ड्रेजिंगाचें प्रमाण 15 द.ल.घन भितर जाल्यार प.प्र.त. 7 द.ल.घन.मी. आसा अशें म्हणलां.

g. ताचेर स्पश्टीकरण दितना. कंपनीचे श्री. अंबे हांणी 15 द.ल.घन.मी. आशिल्ल्याचें सांगलें. 60% वावर हाचे आदींच पुराय जाल्ल्याचें सांगलें.

h. सुप्रिम कोर्टांत सादर केल्ल्या प्रतिज्ञापत्रांत एम.पी.टी.न 64% ड्रेजिंग पुराय जाला म्हूण सांगलां. पूण प.प्र.त. अहवालांत फकत 55% ड्रेजिंग पुराय जाला म्हूण सांगलां. खंयची संख्या खरी आसा?

i. ताचेर स्पश्टीकरण दितना श्री. अंबे हांणी सुप्रिम कोर्टाक प्रतिज्ञापत्रांत जाप दिवपाच्या संदर्भांत प.प्र.त. तयार करता आसतना गाळ भरिल्लो नदरेक आयलो, देखून 55% ड्रेजिंग आसा अशी माहिती दिली.

j. अहवाल तल्यो विसंगती तांणी दाखोवन दिल्यो आनी सद्या आशिल्ल्या आनी फुडाराक जावपाच्या प्रकल्पांचो एकवटीत प्रभाव अभ्यासपाची गरज उक्तायली.

k. बर्थ क्र. 8 आनी 9 त लेगीत कॅपिटल ड्रेजिंग जातलें. बर्थ क्र. 5 ए आनी 6 ए एकामेकांक जोडिल्ले आशिल्ल्यान तांचो विस्तार करपा खातीर कॅपिटल ड्रेजिंग जातलें, हें अहवाल भितर सांगपाक जाय आशिल्लें. जशे बंदराचेर बर्थ 5 आनी 6 ए चो विस्तार, कॅपसायज वॅसल्सा खातीर प्रवेश चॅनल आनी इनर बेजिनाचें खोलायकरण, तशेंच बर्थ क्र. 8, 9 आनी बार्ज बर्थाचें पुनर्वसन हांचे विशीं प.प्र.त अहवालांत सांगलां.

l. पर्यावरणीय संवेदनशील थळां विशीं बरयतना चिखली, सांखवाळ ह्यो खाडी तशेंच चिखलीच्यो मॅगालिथीक गुंफो आदींचो उल्लेख करूंक ना. तशेंच संरक्षण आस्थापनां देखीक नावीक शस्त्रागार, नावीक विमानतळ, दाटायेच्या लोकसंख्येचे वाठार हांचो विचार करूंक ना.

m. हॉस्पिटलां, शाळा, गोंय वैजकी हॉस्पिटलां, महाविद्यालयां अश्या लागींच्या समाजीक सुविधांचो उल्लेख  अहवालांत करूंक ना. तेच प्रमाण कळंगूट, कांदोळी, मिरामार, करंजाळें, दोनापावला आदी पर्यटक सुवातींचो उल्लेख करूंक ना. खारीवाडा, बायणा, चिखली आदी खाडींतल्या नुस्तेमारी सुवातांचो उल्लेख करूंक ना. III(11) भितर पर्यावरणीय प्रदुशणाक अधीन सुवाती ह्या वाठारांत ना अशें म्हणलां. गों.रा.प्र.नि.मं.न एम.पी.टी.क तांचे भों.ह.गु. स्तर वाडिल्ल्याची नोटीस धाडल्या.
n. 3-12 हाचे भितर सडा आनी डेस्त्रो आदी वयल्या भूंयस्खलनाची माहिती कंपनीन लिपयल्ली आसा. अशें मत तांणी मांडलें.
o. अहवालांत आमी दिल्ले माहिती कडेन आमी बांधील आसा अशें एम.पी.टी.चे का.अभि. श्री. अंबे हांणी सांगलें.
p. जर अहवाल भितरली माहिती चुकीची आसत जाल्यार प्रकल्प भायर उडयतले आनी ताची मंजुरी काडून घेतले, ह्या प्रतिज्ञा पत्राचेर प्र.प्र.न निशाणी केल्या देखून ह्या प्रकल्पाची मंजुरी काडून घेवची.
q. परिच्छेद 3 आनी 6 भितर पर्यावरण रान आनी हवामान मंत्रालयान तांकां समुद्री जैवविवीधतायेचो अभ्यास करपाक सांगिल्ले. तो कंपनीन केला काय म्हूण तांणी प्रस्न केलो.
r. हो अभ्यास एन.आय.ओ. गोंय च्या आदारान केलां अशें श्री. अंबे हांणी सांगलें.
s. ह्या अहवालांत उपकार आनी शय वळेरेचो आसपाव कित्याक करूंक ना?
t. एन.जी.टी.च्या आदेशा उपरांत डिसेंबर 2016त एन.आय.ओ.चो अहवाल हातांत आयिल्लो, देखून ताचो आसपाव प.प्र.त.त करूंक ना. तशेंच एन.आय.ओ.चो क्षारताय अहवाल लेगीत डिसेंबर 2016त मेळील्लो देखून तो लेगीत प.प्र.त.त आसपावंक ना.
u. एन.आय.ओ.न केल्लो अभ्यास भौसाक वाचपा खातीर उपलब्द करून दिवपाक जाय आशिल्लो, अशें श्री. दिनेश डायस हांणी सांगलें.

14. **फा. गाब्रियाल कुतिन्हो**

a. आपूण सगळे दीस सादरीकरण आयकल्लें आसा. नितळ आनी पांचवें पर्यावरण अशें वातावरण गोंयकारांक जाय. एके वटेन आमी स्वच्छ भारत म्हणटात, पूण दुसरे वटेन प्रदुशण करतात. हवा नितळ राखिल्ले खातीर कंपनीक पुरस्कार मेळटात. हे अशें कशें? असो प्रस्न तांणी केलो.
b. चर्ची कडेन आयल्यार धुल्ल प्रदुशण पळोवपाक मेळटले. लोक आपलीं दारां आनी जनेलां कित्याक लागून बंद दवरतात तें कंपनीन सोदून काडचें, अभ्यास करचो अशें तांणी सांगलें. गोंयच्या लोकांक कंपनीन जाप दिवपाची गरज आसा. लोक हांगां शांततायेन रावपाक सोदतात. विकास मनशा खातीर, मनशाक केंद्रबिंदू धरून करपाची गरज आसा. एम.पी.टीं.त कामाक आशिल्ले एके व्यक्तीन आपल्याक विचारलें, एम.पी.टी. बंद पडली जाल्यार पाद्री आपल्याक जॉब दितलो काय म्हूण? पूण फकत विकास कोणा खातीर ? हाचो विचार आमी सगळ्यांनी करपाक जाय. सरकाराक जाय जाल्यारूच सरकार विकास करपाक शकता. 25 लाख रुपयांची देणगी जे.एस.डब्लू.न चर्च आनी स्कुला खातीर दिल्या, अशें तांणी सांगलें.

c. खंयचेय तरेचे पयशे जे मनशान घेतल्यात ते मनीस पणाच्या आड आसपाक जायना. मनशान खंयचेच तरेचे गुन्यांव करपाक जायना, अशें ताणी सांगलें.

15. **श्री. कस्टोडियो डिसोझा, खारीवाडा**

a. वास्को. ओल्ड क्रोस फिशरमॅन कमिटीचे अध्यक्ष. वास्को अगेन्स्ट कोल' ह्या चळवळीचे निमंत्रक.

b. आपल्याक दोन दिसां उपरांत हे सुनावणेंत उलोवपाची संद मेळ्ळी. परंपरीक नुस्तेकारांनी एम.पी.टी.आड एन.जी.टीं.त केस दाखल केली, म्हणून ही सुनावणी हांगां घडून येता, अशें मत तांणी मांडलें. जिल्ल्याधिकारी आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे दोळे तो मेरेन बंदूच आशिल्ले, असो आरोप तांणी केलो. एम.पी.टी.न 60% वावर बेकायदेशीरपणान पुराय केला.

c. तांणी उदकाचेर- न्हंयांचेर बलात्कार केला.

d. मंडळान एम.पी.टी.चेर कितें कारवाय केल्या? जर करुंना जाल्यार बेगोबेग कारवाय करची, अशी तांणी मागणी केली.

e. ही केस सुप्रिम कोर्टांत आसा अशें कंपनीच्या प्रतिनिधीन सांगलें. ताचेर कस्टोडियोन ती सुप्रिम कोर्टा मुखार न्हय तर एन.जी.टी. मुखार आसा, अशें सांगलें.

f. एम.पी.टी.न ही सुवात परतून आशिल्ले ते अवस्थेंत हाडून दवरपाक जाय. हे तुमी केन्ना करतले? असो प्रस्न एम.पी.टी. आनी गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक केलो.

g. एन.जी.टी.ची केस नुस्तेकारांच्या खर यत्नांक लागून आमी जिखली. परतून मुळावे परिस्थितीचेर हाडपाच्या प्रस्नांक आपूण जाप दिवपाक शकना, अशें मंडळाच्या अधिकाऱ्यान तांकां सांगलें.

h. ही केस सुप्रिम कोर्ट आनी एन.जी.टी.न आसा अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी मान्य केलें.

i. खारीवाड्याचेर सर्वेक्षक आयिल्लो आनी नवे जेटीचें सर्वेक्षण तांणी करपाक सुरवात केल्या, असो प्रस्न विचारतकीच, तांतूत एम.पी.टी.चो खंयचोच अधिकारी नाशिल्लो. खारीवाड्यार खंयच्याच अधिकाऱ्याक आमी धाडूंक नाशिल्लो, अशें कंपनीच्या प्रतिनिधीन सांगलें. ड्रेजिंग वावराचेर स्थगिती हाडपाचो यत्न लोक करताले तेन्ना थळावो आमदार तांकां आपोवन व्हरतालो. खारीवाड्यार आजुनूय बी नुस्तेमारीचो गांव म्हूण सरकारान घोशीत करुंना.

j. खारीवाड्याक नुस्तेमारी गांव म्हूण घोशीत करपा खातीर फा. बिस्मार्क हांणी 2011 वर्सा खूब व्हड आंदोलन केल्लें, ताची तांणी याद करून दिली.

k. 60% उसपिल्ली जमीन परतून आसा तशी करून दिवची, अशी आपली मागणी आसा, अशे श्री. कस्टोडियोन सांगलें.

l. ड्रेजिंगाक लागून लोकांचीं घरा मोडल्यांत. एन.जी.टी.न केस घातिल्ल्यान 150 ते 200 कोटी रुपयांचें लुकसान जाल्ले आसा, अशें नितिन गडकरीन म्हणलां. ते पयशे लोकांचे आसात, अशे कस्तोडियोन सांगलें.

m. जाल्लें लुकसान 150 कोटी काय 250 कोटी तें गडकरीक सारके खबर ना. 100 कोटी रुपया कोणेंतरी हातासल्यात, लुटल्यात, अशें मत तांणी मांडलें.

n. 60% ड्रेजिंगाक लागून नुस्तेकारांचें भोवच लुकसान जालां. नुस्तेकार शास्त्रज्ञ न्हय, पूण तांकां भोवच गिज्ञान आसता. ड्रेजिंगाक लागून नुस्तेकारांचे जाळ नश्ट जाल्यात. आपणें ह्या संदर्भान कागाळ केल्ली. ड्रेजराच्या कॅप्टनान आपल्याक त्या संबंदान गाळी घातल्यो. आपूण आयज त्या वाठारांत जाळें घालपाक शकना. थंय कसलेच तरेचे सायन बोर्ड लावंक ना. त्या वाठारांत सायन बोर्ड लावपाक मेळना, अशें नुस्तेमारी खात्यान आपल्याक बरयल्ल्या पत्रांत सांगलां, अशें तांणी सांगलें. आपणें चॅनला भायर जाळें घातिल्ले तरी तांणी तें नश्ट केलें आनी वयल्यान आपल्याक गाळी घातल्यो.

o. नुसतेमारी खात्यान नुस्तेकारांक चॅनलांत नुस्तेमारी करुंक मेळची ना म्हूण पत्र बरयलां.

p. आपणे चॅनला भायर जाळें घालून लेगीत ड्रेजर कॅप्टनान आपलें जाळें पिड्यार केलें, जाका लागून आपणाक 70,000 रुपयांचें लुकसान भोगचें पडलें.

q. 60% बेकायदेशीर ड्रेजिंगाक लागून नुस्तेमारींत उणाव जाला. नुस्तें उत्पादन उणें जालां.

r. 108 वांगडी आनी 5 कुटुंबां सयत ओल्ड क्रोस सोसायटी ह्या प्रकल्पाक विरोध करता.

s. बायणा रापणकारांची हीच मागणी आशिल्ली. 60% ड्रेज केल्ले सुवातेचें पुनर्वसन कंपनीन करून दिवचें, अशी मागणी करून कस्तोडियोन आपले उलोवप सोंपयलें.

16. **सबिना मार्टीन्स, गोवा बचाव अभियान आनी बायलांचो साद**

a. सगळी माहिती आपल्याक दिवंना म्हूण प्राथमीक हरकत घेतली.

b. आपल्याक मत मांडपाक आनीकूय वेळ दिवचो अशीय तांणी मागणी केली.

c. तिनूय प्रकल्पाची सुनावणी एकाच वेळार घेवची अशीय तांणी मागणी केली.

d. दरेका खात्याक जमीन वापराचें प्रमाण दिवपाक सांगिल्लें, पूण सगळो मेळून जमीन वापर मेजल्यार आशिल्ल्या जमनी परस तो चड जाता, अशें मत तांणी उक्तायला.

e. कांय प्रकल्प भुंयेचेर आशिल्ल्यान विकास येवजण्यांची गरज आसा. ती करपाक लोकांच्या सहभागाचीय गरज आसा. लोकांची मान्यताय आसले बगर असो प्रकल्प राबोवप शक्य ना, अशें तांणी सांगलें.

f. ह्या प्रकल्पाक लागून नुस्त्यांच्यो तांतयां घालपाच्यो सुवातो नश्ट जातल्यो.

g. नुस्तेकारांच्या हिता परस कंपनीचेंच हीत चड म्हत्वाचें आसा अशें दिसता, अशें मत तांणी मांडलें.

h. गोंयच्या इको-संवेदनशील थळां विशीं हुस्को निर्माण जाल्लो आसा. ह्या प्रकल्पाक लागून गोंयचे पांचवेचारपण नश्ट जातलें आनी गोंयची शुद्ध हवा नश्ट जातली, अशें तांणी म्हणलां.

i. राज्य सरकारान इको-संवेदनशील थळांची राखण करूंक जाय.

j. इको संवेदनशील थळांची राखण करतले जाल्यार कोळश्याचे प्रकल्प बंद करपाक जाय.

k. अश्या प्रकल्पाक लागून स्वासाचीं दुयेंसा, खोकली, अस्थमा अश्या प्रकारचीं वेग-वेगळीं दुयेंसां जातात.

l. भलायकेचेर जावपी हे परिणाम अहवालांत खंयच दिश्टी पडनात.

m. भारत हवामान बदल कराराक बांधील आसा. अजिवाश्म इंधनांचो वापर जावपाक जाय, अशेंय मत तांणी मांडिल्लें आसा.

n. पूण दुसरे वटेन कोळश्याक उर्बा दिवपी कंपनीचें हे धोरण  मात पुराय रितीन चुकीचें आसा, अशें तांणी म्हणलां.

o. गोंयांत प्रदुशीत म्हाल हाडपाक जायनात आनी सरकारान निवळ उर्जा धोरण आपणावपाक जाय, अशें तांणी म्हणलां.

p. मंडळान ड्रेजिंग थारावपाक जाय. आपणाक आपल्यो हरकती मांडपाक आजुनूय वेळ जाय.

q. गोवा बचाव आंदोलन आनी बायलांचो साद अश्या दोनूय संस्थांच्या माध्यमांतल्यान ह्या प्रकल्पाक तांणी आपलो विरोध जाहीर केलो.

r. गोवा बचाव वास्कोकारांच्या ह्या संघर्शाक तेंको दिता अशें तांणी म्हणलें.

s. बायलांचो साद हे संस्थेचे वतीन नुस्तेमारीचें लुकसान जावन नुस्तेमार बायलांच्या पोटांचेर पाय येतलो, अशें तांणी म्हणलां.

t. समाजा मदीं फूट पडटली. कोळश्याचे येरादारीक लागून 'अस्थमा' आनी 'कफ' हे तरेची दुयेंसां जातलीं.

u. बायलां भुरग्यांची भलायकी इबाडटली.

v. घरांचेर कोळश्याचो काळो कस चडिल्ल्या कारणान लोकांचे जिणेचो दर्जो इबाडटलो आनी बायलांचो दीसपट्टो वावर वाडटलो.

w. कोळश्याच्या धुल्लाक लागून घरकान्न बायलांचें काम वाडटा.

x. सगळी कागद पत्रां दिवंक नाशिल्ल्या कारणान ही सुनावणी आनीकूय फुडें धुकलची, अशें मत तांणी मांडलें.

y. आपूण पणजे रावतां पूण कोळश्याचो आपल्याचेर लेगीत परिणाम जाता.

z. कार्बन प्रदुशणाची तीय बी एक बळी आसा.

aa. कार्बन प्रदुशणाचेर तिणें थिसीस बरयल्या. कार्बन हाताळिल्ल्यान तिचे भलायकेचेर परिणाम घडला. ताका लागून तिचे दीसपट्टे जिणेचेर परिणाम घडला.

bb. आतां तिका आपल्याक जाल्ल्या दुयेंसा खातीर व्हड व्हड वैजकी बिलां भरचीं पडटात.

cc. कोळश्याची हाताळणी मनीसबळ वापरून केल्ल्या कारणान स्वासाचीं दुयेंसां जातात.

dd. खनिजाच्यो राशी रचिल्ल्या कारणान तांकां उजो लागूं येता.

ee. कोळश्याचेर शिंपडिल्ल्या उदकांतल्या लिचेटाक लागून कितलेंशेच प्रदुशण जाता.

ff. ड्रेजिंगेक लागून नुस्तीं मरतात.

gg. पॅरिस परिशदे उपरांत नेरी'न घडोवन हाडिल्ले आंतरराष्ट्रीय संमेलनाक सगळ्या मुखेलमंत्र्यांनी जिवाश्म इंधनां कडल्यान नुतनीकरणी उर्जे कडेन वचपाचो सोंपूत घेतलो.

hh. एम.पी.टी.न केल्ली कोळश्याची आयात गोंय सरकाराच्या धोरणा आड आसा.

ii. एम.पी.टी.न कोळसो आयात करप म्हणल्यार राज्य सरकार आनी केंद्र सरकाराच्या धोरणाच्या उरफाटें जातलें.

jj. मंडळान ड्रेजिंग आनी कोळसो विस्तार हांचे विशीं मांडिल्लीं मतां मतींत घेवचीं.

17. **श्री. अभिजीत प्रभूदेसाय**

a. नाबार्डच्या मुल्यांकन चिन्हांचेरूय प्रस्न चिन्ह निर्माण जाल्लें आसा. बंदराचो आसपाव आसा काय ना? ह्या प्रकल्पाची वैधताय कंपनीन लोकां मुखार दवरची.

b. एम.पी.टी.न पान क्र. 1-10 भितर खोलायेन अभ्यास केला. एम.पी.टी.न केल्ल्या संभव-अभ्यासाचो अहवाल तांणी लोकां मुखार मांडचो. 2014 वर्सा वॅपकोसान केल्ल्या अभ्यासांत वैयक्तीक पूर्वग्रह आसा.

c. नांवांचे वळेरी मुखार ज्यो निशाण्यो आसात, त्यो स्कॅन केल्ल्यो आसात. खरेपणान प्रत्यक्ष निशाणी करपाची गरज आशिल्ली, अशेंय मत श्री. अभिजीत प्रभूदेसाय हांणी मांडलें.

d. कंपनीन दिल्ली जैवीक माहिती पुराय रितीन अर्दकुटी आसा. 30 तरांचीं सुकणीं ह्या अहवालांत मेळटात. पूण खरेपणान गांवांत भोंवपी मनशाक लेगीत ह्या वाठारांत 70-80 सुकणीं दिश्टी पडटात.

e. अहवाल भितर पुराय फटींगपणाचीं माहिती दिल्या. वास्को 5 कि.मी. चेर आसा अशें म्हणलां. खरेपणान हो प्रकल्पूच वास्को शारांत आसा.

f. सत्य हेतूपुर्वक लिपोवप म्हणल्यार ही प्रक्रियाच रद्द जावपाक दिल्लें बेसबरें कारण. हे तिनूय प्रकल्प एकामेकांक जोडिल्ले नात, अशें 22 -23 परिच्छेदांत म्हणलां, तें विसंगत आसा.

g. फॉर्म 1च्या अनुभाग 1.18 आनी 1.19 भितर ना अशी जाप दिल्या. ती एक सुरय फटास.

h. भलायकेचेर कांयच परिणाम जावचे नात, अशें कंपनीन 3.2 भितर म्हणलां, जाल्यार प.प्र.त.भितर स्वासाचीं दुयेंसां वाडल्यांत, अशी परस्पर विरोधी विधानां कंपनीन केल्लीं आसात.

i. अहवाल भितर तिनूय प्रकल्प एकामेका कडेन जोडिल्ले आसात, ही गजाल लिपोवन दवरल्या.

j. 2-9-16 तरखेच्या एन.जी.टी.च्या निकालांत तिनूय प्रकल्प एकूच आसात काय ना ताचो विचार करपाक प.रा.ह.ब.मं.क सांगिल्लें, पूण तांणी तसो विचार करूंक ना.

k. 10-10-16 तारखेक जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण पर्यावरणीय मंजुरीचेर एक स्वतंत्र पाठ घालपाची अट आशिल्ली. पूण प.प्र.त.त ताचो कांयच उल्लेख ना. पुराय अहवाल पुर्ततायांची माहिती नाशिल्ल्यान अर्थशुन्य जाला.

l. जी.सी.झेड.एम.ए.च्यो शिफारशी नाशिल्ल्यान प.प्र.त. अहवालांत तांचो विचार जावंक ना.

m. समुद्री जौव विविधतायेचो अभ्यास करूंक ना, फकत 2 दीस नोंदी घेतल्यात.

n. दर्यादेगेची धूप जाता आशिल्ल्यान जी.सी.झेड.एम.ए.न एका वर्साचो अभ्यास करपाची सुचोवणी केल्ली.

o. प्रस्तरांच्या खोदकामाचें विश्लेशण करूंक जाय आशिल्लें. ते बगर ड्रेजिंग करप तत्वीक नदरेन चुकीचें.

p. आतां मेरेन केल्ली हानी भरून काडपाक जाय, तेन्नाच योग्य माहिती हाताक गावतली.

q. मेंटेनन्स ड्रेजिंग 3 द.ल. वेल्यान 6 द.ल. मेरेन वाडयलां. ताका लागून बॅन्थीक जीण, वनस्पत, प्राणीजिवन नश्ट जातले.

r. प.प्र.त.त.ल्या समाजीक-अर्थीक प्रभाव-अभ्यासांतल्यान लोकांक पिशे करपाचो यत्न केला. देखीक नुस्तेकारांच्या संदर्भात जे लोक व्हडा प्रमाणांत तिसऱ्यो कुल्ल्यो धरतात त्या सांकवाळ, कुठ्ठाळी हांगाच्या लोकांची माहिती ना. प्र.प्र.न ही माहिती जाणीवपुर्वक लिपयल्या.

s. ड्रेजिंग आनी समुद्री जीण हांचो परस्पर संबंद आसा. खंयचेच संख्येचें प्रमाण दिल्लें ना.

t. डॉल्फिन्सांक हांगाच्यान दोनापावला खाडी मेरेन स्थलांतरीत जावचें पडटलें. परिच्छेद 4.1.3 ल्यान हें विश्लेशण करूंक ना, हें सिद्ध जाता.

u. तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम शिकपाक जाय.

v. हवेंत हुबपी कोळश्या भायर कोळसो मार्गाचेर रेल्वे आनी ट्रक हांच्या रेल्वे इंजिनांतल्यान भायर सरपी धुंवर आदींच्या त्या मार्गाच्या आशीकुशीक रावपी लोकांचेर जावपी प्रभावांचो अभ्यास करूंक जाय. सद्याक हांगा आदींच येरादारीची कोंडी जाल्या.

w. वास्को खाडी आनी न्हंयो ह्यो गोंयकारांच्यो आनी खासा करून नुस्तेकारांच्यो जिवनदायिनी. कॉर्पोरिटांच्या फायद्या खातीर तांकां वापरूंक जायना.

x. आतां मेरेन खर्च जाल्ल्या रुपया 380 कोटी निधीची चौकशी जावपाक जाय. तें भौसाचे पैशे आसात.

y. एम.पी.टी. बिजनेस प्लॅन आनी सागरमाला प्रकल्प प्र.प्र. विसरला. गोंयच्या न्हंयांतल्यान कोळश्याची हाताळणी केली जाल्यार ताचे भयानक परिणाम जातले. बांद आनी नुस्तें हांची हानी जावन समाजीक-अर्थीक स्थितीचेर परिणाम जातलो.

z. हवामान बदलाचो कसलोच अभ्यास करूंक ना. 5 लाख लोक मरतले, असो एक खाजगी अहवाल सांगता, अशें मत तांणी मांडिल्लें आसा.

aa. प.प्र.त अभ्यासाचेर आदारून फकत केपसायज जहाजां भितर हाडटले आनी ‘फ्रेट चार्जिसांची बचत करतले.

bb. प.प्र.त. अहवालांत सम्यक विकास आनी प्रतिबंधक तत्वां ही उतरां वापरिल्ली आसात.

cc. पान क्र.5-8चेर जैव-विविधताय वसुली येवजणे प्रमाण एका वर्साचो अभ्यास करचो पडटा.

dd. जे प्रभाव जातले तांचें प्रमाण कितलें आसतलें? सेडिमेंटेशन, हायड्रोडायनामिक्स आनी सिल्टेशन हांचो अभ्यास कंपनीन ह्या प्रमाणांच्या स्वरुपांतन करुना, अशें मत तांणी मांडलां. गाळ प्रमाणाची टक्केवारी वा प्रमाण कंपनीक खबर ना. ह्या प्रस्नाची जाप बरोवन दितले, अशें वॅपकोसान आपल्या ह्या अभ्यासांत सांगलां. रुमडावाडो- दोंगुर्ली धरून पुराय वसणूक कोंसळटली, अशे कंपनीचे अहवाल सांगतात, अशें मत तांणी मांडलां.

ee. जे फातर काडून उडयतले, त्या फातरांचें प्रमाण कितलें आसतलें? तें कंपनीक खबर ना.

ff. खारीवाड्याचेर ह्या प्रकल्पाचो सगळ्यांत चड परिणाम जातलो आनी नुस्त्यांच्यो तांतीं घालपाच्यो सुवातो नश्ट जातल्यो.

gg. घातक गाळ काडून उडोवन बंदराचो उपेग थळाव्या लोकां खातीर करचो, अशी मागणी अभिजीत प्रभूदेसाय हांणी निमाणे कडेन केली.

18. **श्री. कार्लुस आल्मेदा, आमदार**

a. भायल्यान हाडिल्ल्या कोळश्याचो गोंयचे एके तरी कंपनीक फायदो जाता? असो प्रस्न केलो.

b. तशेंच कंपनीन भलायकी सर्वेक्षण केलां? असो प्रस्न तांणी विचारलो.

c. वास्कोचे नगरपालिकेन वास्को शारांत कोळश्याचे वाहतुकीचेर बंदी घातल्या, अशे मत तांणी मांडलें.

d. प्रदुशण स्तर चड आसतना लेगीत गोंयांत कोळसो कित्याक हाडपाक जाय? असोय प्रस्न श्री. कार्लुस आल्मेदा हांणी केलो.

e. एम.पी.टी. आमकां भायले म्हणटा. पूण आमी पयले गोंयकार जावन आसात, अशें मत मांडलें.

f. मंडळान हाचे फुडें डिजिटल तपासणी करपाक जाय, सतत करपाक जाय, अशें तांणी मत मांडिल्लें आसा.

g. सगळे एन.जी.ओ. जांणी हे भौशीक सुनावणेक हाजिरी लायल्या आनी लोकांक मार्गदर्शन केलां, तांचे तांणी उपकार मानले.

19. **श्री. भारत कामत**

a. प्रुडंट मिडियान ह्या ड्रेजिंगाचे परिणाम दाखयल्यात, तांचे विशीं तांणी लोकांक सादूर केले.

b. वॅपकोसान अर्दकुटो अहवाल सादर केल्लो आसा. जमीन, उदक आनी पश्चीम घाट ह्या तिनांयचेर ह्या प्रकल्पाचे वायट परिणाम जातले, अशें तांणी म्हणलां.

c. डॉ सलीम अली पक्षी अभयारण्याचो हातूंत उल्लेख लेगीत केल्लो ना, अशें ताणी सांगलें.

d. कसलीय घडणूक घडून आयली जाल्यार कंपनी जापसालदारकी घेतली वा ना? असो तांणी प्रस्न केलो. प्रकल्पाचो फायदो कोणाक?

e. कॅपिटल ड्रेजिंग प्रकल्पाचो कोणाक फायदो जातलो?

f. प्र.प्र.न जाप दिली, ह्या प्रकल्पाचो बंदराचो वापर करतल्या दरेकल्याक फायदो जातलो.

g. आपल्या फायद्या खातीर कंपनी भौसाचे पयशो खर्च करता, असो आरोप तांणी केलो.

h. प्रस्तावकान सेस रक्कम भरुना, तांचेर ड्रेजिंगाचो सेस लागू करतले काय ना? म्हणून श्री. भारत हांणी प्रस्न केलो.

i. नुस्त्यांच्या तांतयां घालपाच्या सुवातांचो अभ्यास कंपनीन करूंक अशें तांणी म्हणले.

j. आगशीं, सांताक्रूज, नेरूल, कांदोळीं, कळंगूट आदी पंचायतींक प.प्र.त. अहवालाची प्रत मेळूंक ना. तशेंच पणजी महानगर पालिका आनी 10 कि.मी. भितर आशिल्ल्या अभ्यास वाठाराक लेगीत अहवालाची प्रत मेळूंक ना.

k. अभ्यास वाठारांतल्या मातयेचो अभ्यास लेगीत कंपनीन करूना.

l. कसले तरेचे ड्रेजिंग कंपनी करतली?
m. कंपनीन जलाशयांचो अभ्यास केला? जलाशय सोंपिल्ल्यान कृशी संकट उबें रावतलें.
n. प.प्र.त. अभ्यासांत एन.आय.ओ. कडेन उपलब्ध आसून लेगीत भूंयकांप अभ्यास कंपनीन आसपावूंक ना.
o. भूंयगर्भशास्त्र, वसणुकांची शक्यताय आदींचो विचार करूंक ना.
p. मातयेंतल्या पुश्टीक घटकांची उदरगत मतींत घेवंक ना.
q. राजभवन, दोनापावल धरून सगळी दर्यादेग दर्यांत आसपावता आनी ह्या आवाठांत येता, अशे सांगून सी.डब्लू.पी.आय.एस. अभ्यासा वयल्यान दर्यादेग व्हांवून वतली हें स्पश्ट दिश्टी पडटा.
r. दर्यादेगेची धूप जाता म्हूण सी.डब्लू.पी.आर.एस.न आपल्या अभ्यासांत सांगलां.
s. ड्रेजिंगाचो सगळ्या वनस्पतींचेर परिणाम जातलो.
t. पालसाणीच्या टी.ओ.ई. सयत प्रस्तर थर कापप हो हुस्क्याचो विशय आसा, ताका लागून भूंयस्खलन जावं येता.
u. ड्रेजिंग अशास्त्रीय पद्दतीन करतले आनी ताका लागून खाडी आनी देर्यादेगो सकयल वतले अशेंय मत तांणी मांडला.
v. कंपनीन हुंवाराचो अभ्यास करूंक राजभवनाच्या बुन्यादी फातराक वेंरो गेल्यात, असोय अहवाल हातांत आयला म्हणपाचें तांणे सांगलें.
w. कांय वर्सां फाटी राजभवनाच्या फातरांक तडे गेल्यात, हाची खबर प्रसारमाध्यमांनी जाहीर केल्ल्याचें तांणी सांगलें.
x. मातयेची धूप जाल्ल्या कारणान दोनापावला दोंगुल्लेच्या पायथ्याची हानी जाल्या. पुर्तुगिजांनी बांदिल्ली एक वणत मोडिल्ल्यान अस्थिरताय निर्माण जाल्या.
y. ड्रेजिंग करता आसतना गोंयांतल्या दर्यादेगांच्या राखणेचोय विचार करूंक जाय. प्र.प्र.न राजभवनाचे माहितीचो अभ्यास करूंक ना.
z. 10 कि.मी.तल्या भोंवतणेच्या सगळ्या वाठारांचेर जाल्लो ड्रेजिंगाचो परिणाम थाराय मेरेन ड्रेजिंगाचो वावर स्थगीत दवरूंक जाय.

20. **फा. जुजे आंतोनियो कोस्ता**

a. एम.पी.टी.क लोक हाचे पयलीं सदांच रेस्पेदांत पळयताले.
b. पूण आयज गोंयकारांचे हीत पळोवपाचें सोडून ही कंपनी उद्देजकांचे फायदे पळयता.
c. पयली ती लोकांक अन्न दिवपी संस्था आसली. पूण ती आयज कोळश्याचे हाताळणेक लागून एक हुस्क्याचो विशय जाल्ली आसा. नुस्तेमारीचें प्रमाण देंवला आनी कोळसो खायिल्ले नुस्तें आयज आमी खातात.

21. **श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस**

a. प्रकल्पाक लागून नुस्त्याचे जिणेचेर जावपी प्रभावाचो अभ्यास करूना जाल्यार पर्यावरणाचेर जावपी प्रभावांचो अभ्यास कंपनी कसो करतली?

b. बॅन्थीक जिणेचेर ह्या प्रकल्पाचो व्हडलो परिणाम जातलो, अशें तांणी सांगलें.
c. दर्यांतलें व्हडलें नुस्तें पयस वतलें. प्रदुशण वाडटलें आनी नुस्त्याच्या उत्पादनाचेर ताचो परिणाम जातलो, अशें तांणी सांगलें.
d. उदकाची खदुळसाण वाडटली आनी समुद्री जीण उणावतली.
e. डंपींग सायटीचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना. हाचे आदीं असोच प्रस्न विचारिल्लो ताची जाप कंपनीन दिवंक ना, अशें अध्यक्षानी ह्या वेळार सांगलें.
f. अहवाल तयार करचे पयलीं अभ्यास केल्ली माहिती कोणें वाचल्या? अध्यक्षांनी सांगलें जर तांणी अभ्यास केल्लो जाल्यार ताची संदर्भावळ ह्या प्रकल्पाक जोडिल्ली आसतली आशिल्ली.
g. तापमानांत जावपी 2% वाड आडावपाक येना.
h. पूण कोळसो उणो करून ती नियंत्रणांत दवरूं येता. आपूण वास्कोकार आयज कासांवले रावता, पूण रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो आपल्याचेरूय परिणाम जातलो.
i. ''अवर गोल नो कोल'' अशी घोशणा करून तिणें आपलें उलोवप सोंपयलें.

22. **श्री. जुडीत आल्मेदा**

a. ह्या प्रकल्पा विशीं जायत्या लोकांनी संशोधन केलां, तें तांणी लोकांचे नदरेक हाडून दिलें.
b. हो प.प्र.त. अहवाल पुराय तरेन चुकीचो आनी लोकांची दिशाभूल करपी आसा, अशें मत तांणी मांडलें.    .
c. गोंयच्या पर्यावरणाची फुडल्या पिळग्यां खातीर राखण  करपाक जाय, अशेंय मत तांणी मांडलें. .
d. पश्चीम बायपासाची बांदकामा विशीं तिणें माहिती दिली आनी पीसमील बांदकाम लोकांच्या दोळ्यांक उदक लावपी आसा अशें सांगलें.
e. वृक्ष लागवडेचो विचार पयली करूंक जाय. हे विशीं सरकार चिंती लेगीत ना, हे विशीं शीण परगटायलो.
f. पर्यावरणी प्रदुशण मंडळाचे शास्त्रज्ञ गोंदळिल्ले स्थितींत आसात. ते कसले जापो दितले? असो प्रस्न तांणी केलो.
g. सगळे तरेच्या जिवांक मनीसपणाचे बावनेंतल्यान पळोवपाची गरज तिणें परगटायली.,    .
h. तिणें भोपाळांत जाल्ले आपत्तीचो उगदास करून दिलो. गोंयचेर जाल्ल्या कोळश्याच्या प्रभावा विशीं आतां मेरेन कसलीच माहिती उपलब्ध ना. बारीक घणकणांचें पीदुशण उणें करूंक कसलेंच उपाय नात.
i. कोळसो टर्मिनलांत प्रचंड विस्तार केल्ल्या कारणान लोकांच्या जिविताक धोको निर्माण जाला.
j. भलायकी परिणामा विशीं कसलेच संशोधन कंपनीन करूंक ना.
k. तशें संशोधन आसल्यार ते अहवालांत येतलें आशिल्लें अशें  स्पश्टीकरण अध्यक्षांनी दिलें.
l. तपासणी केंद्रां एक आनी दोन न्हय तीं चड आसपाक जाय आशिल्लीं.

m. कोळश्याचे बारीक कण हवेंत हुबतात, ते विखारी आसतात,  तांचे विशीं कंपनीन कसलोच विचार अहवालांत करूंक ना.

n. गोंयचें प्रदुशण करपी लोकांचेर केशी घालपाक जाय, अशें बी मत तांणी मांडलें.

o. वास्कोकारांची जीण त्रासदायक जाल्या. एम.पी.टी. स्वताच एक प्रस्नचिन्न आशिल्ल्यान, एम.पी.टी.क बर्थ भाडेपट्टेचेर दिवपाक कसलेंच रजांव ना.

p. पांचवेचार आनी चिरस्थायी अश्या विकासाची मागणी केली.

23. **डॉ. शांताराम सुरमय**

a. ह्या प्रकल्पाक विरोध केल्ले खातीर तांणी लोकांची तोखणाय केली.

b. भौशीक सुनावणेक सगळ्यांक मतां मांडपाची संद मेळपाची गरज आसा.

c. लोकशाय थोड्याच लोकां खातीर आसना, ती भौसा खातीर आसता.

d. भौ.सु. घेवपाक कोणें फोर्सार केलें? मल्ल्यान?

e. गोंयची वाट लावं नाकात, वास्कोचें पयलींच प्रदुशण जालां.

24. **श्री. बर्नार्द मार्कीस.**

a. दुरुस्ती केले बगर 8 आनी 9 बर्थ लिजार कशे दिवं येतात?.

b. हे दोनूय बर्थ थळाव्या व्हडेकारांक दिवचे, अशी मागणी तांणी केली.

c. जमनीचें विभाजन जाल्यार ताच्या परिणामा विशीं तुमकां जाणविकाय आसा?

d. ड्रेजिंग केलें जाल्यार नुस्तें खंय तांतयां घालतले? असो प्रस्न तांणी केलो. हांगा जर मातीच ना जाल्यार किदें रुजतलें?

e. पयलीं लोक खाऱ्या उदकाचें न्हाण घेवपा खातीर वास्कोचे वेळेर येताले. आतां कोळश्याक लागून ते येवपाचे बंद जाल्यात.

f. तुमी लोकांचे श्राप घेवं नाकात.

g. शिक्षीत लोकांनी खूब शाणेपणान वागपाची गरज आसा.

h. आमच्या लागीं दोंगरार वचून रावपाक गोरवां ना, पूण नुस्तें धरपा खातीर तारवां आसात.

i. आमच्या घरांक मात तुमी सी.आर.झेड. नियम लायतात. ही जमीन आमची आसा, गरिबांची आसा.

j. आमी मोनजाती न्हय.

25. **श्री. पिटर आंद्राद, मांगोरहील, वास्को**

a. एम.पी.टी.चो अध्यक्ष आमकां भायले म्हणिल्ले खातीर माफी मागतलो काय ना? म्हूण प्रस्न तांणी विचारलो.

b. एकेवटेन मोदी म्हणटा, सबका साथ सबका विकास. पूण एम.पी.टी. मात म्हणटा 'वास्को का सत्यनास'.

c. ह्या प्रकल्पा विशीं खासदार आनी मुरगांवच्या आमदारान आपलें मत दिवचें.

d. नगरसेवकांनी ह्या प्रकल्पाच्या फावरार वा आड कसलेंय निवेदन दिला?

e. कोयर उबारपाक मुरगांव नगरपालिकेन परवानगी / संमती दिल्या?
f. मंडळाच्या आदेशा उपरांत कोळश्याची हाताळणी 25% तरी उणी जाल्या? म्हूण तांणी प्रस्न विचारलो.
g. मंडळा कडेन स्लज, ऑयल, बार्ज ऑयल ह्यो हाताळपाची तांक आसा? म्हूण तांणी तांकां विचारलें.
h. ह्या प्रकल्पाक तेंको दिवपाक खंयचीय व्यक्ती वा संस्था  हांगा आयल्या? म्हूण तांणी प्रस्न केलो.
i. सोनशी गांवांत प्रदुशणाक लागून थंयचो प्रकल्प बेगोबेग बंद केलो. पूण हांगां मात मंडळान दुसरेंच धोरण आपणायलां आनी आपले खरेंलें रूप दाखयलां.
j. मंत्रालयाक फकत हांगाचें इतिवृत्त न्हय तर पुराय विडियो रेकॉर्डिंग धाडपाची खात्री मंडळान करूंक जाय.

26. **श्री. जॉन फर्नांडीस, बाणावली**

a. दरेकल्याक 5 मिनटां दिवपाच्या अध्यक्षाच्या आदेशाचो विरोध केलो.
b. कोर्टांत खंयचीय केस चालू आसा? ह्या प्रस्नाक कंपनीन ना अशी जाप दिल्या. पूण एन.जी.टी.त केस चालू आसा म्हणपाचे स्पश्टीकरण तांणी दिलें.  ताचेर प्रकल्प प्रस्तावकान केस चालू आसा, अशी जाप दिली.
c. चुकिचे फॉर्म अपलोड करता तांची चवकशी करपाची मागणी श्री. जॉन फर्नांडीस हांणी केली. स्टेजीर बशिल्ल्या अधिकाऱ्यांनी गोंय विकपाक काडलां, असो आरोप श्री. जॉन फर्नांडीस हांणी केलो.
d. सेप्टेंबर 2016त एम.पी.टी.न वेदान्ता वांगडा करार केल्लो. एम.पी.टी. कॉरपोरेटसांक आदार दिता. प.रा.ह.ब.मं. गुन्यांवकारी कंपनी कडेन करार कित्याक करता?
e. एम.पी.टी. स्वताचो आत्मघात करता, कारण ह्या उद्देगाक लागून लोक हळू हळू वयतले आनी ताचो फायदो एम.पी.टी.क न्हय जाल्यार वैजकी आनी फार्मासी वेवसायांकूच चड जातलो, अशें मत जॉनबाबान उक्तायले.
f. प्र.प्र. लोकांक ल्हवू ल्हवू वीख खावपाक लायता.
g. तुमची पांच मिनटां जाल्लीं आसात, तुमी तुमचे उलोवप सोंपोवचें, अशे अध्यक्षांनी तांकां सांगलें. पूण जॉन फर्नांडीस हांणी ताका परतून हरकत घेतली.
h. आयचे हे सुनावणेक दोनूय खासदार कित्याक हाजीर ना? असो प्रस्न तांणी उपस्थीत केलो.
i. तपास करतात तांची चवकशी करपाची मागणी जॉन बाबान केली.
j. तिनूय प्रकल्पांचे कन्सल्टंट खंय आसात? वॅपकोस हे भौशीक तशेंच खाजगी क्षेत्रांतल्या संस्थांचे कन्सल्टंट आसात, ताका लागून हितसंबंदात इबाड जाता.
k. एम.पी.टी.चे अध्यक्ष अर्थीक विकास जातलो म्हणटा. पूण अहवालांत मात तांणी तो कसो तें दाखोवंक ना हाजेर तांणी आक्षेप घेतलो.

l. लोक प्रकल्पाक विरोध करतात, कोळसो प्रदुशणा विशीं हुस्को परगटायनात. एम.पी.टी. अध्यक्षांनी म्हणूंक ना. हो अध्यक्ष वास्कोचो? मागीर तो हेरांक भायले कित्याक म्हणटा? असोय प्रस्न तांणी केलो.

m. नुस्तेकार आनी तांच्या सगळ्या वकिलांचे तांणी उपकार मानले.

n. शास्त्रज्ञांनी आपली शिक्षणीक पात्रताय लेगीत ह्या अहवालांत सांगूंक ना. तांचेर लोक कशे विस्वास दवरतले? असो प्रस्न तांणी केलो. म्हूण अहवाल कृत्रीम थारोवचो अशीं तांणी मागणी केली.

o. पुरावे चुकल्यार सगळें चुकता. इ.ए.सी.न हे सगळें वाच्चें आनी मागीर आपलो निर्णय दिवचो, अशें मत तांणी मांडलें.

p. अहवालांतली आलेखी माहिती पुराय रितीन निराशा करपी आसा. फकत जनगणनेचेर आदारून सल्लागारान अहवाल तयार केला, अशें जॉन फर्नांडीस हांणी सांगलें.

q. वॅपकोसांतल्या व्यक्तींचें मुल्यांकन करपी एन.ए.बी.ई.टी. हे संस्थेन तांची चौकशी करची, अशेंय मत तांणी मांडिल्ले आसा.

r. एम.पी.टी.न लोकांचें जिवीत सुधारपा खातीर सेगीत वावरूंक जाय आनी तशें जावपाक जाय आशिल्लें. पूण फाटल्यां 5 दिसांनी तांचे विशीं कांयच बरें आयकूंक मेळूंक ना, अशेंय मत श्री. जॉन बाबान मांडलें.

s. ब्रिटिशांनी 200 वर्सा आदीं उद्देगीकरण हाडलें. वेल्स देशांत वचून पळोवचें, लोक कशे वळवळटात? आनी एन.सी.एल.सी. मात फकत पयशे करता.

t. अशी स्थिती आयज गोंयांत निर्माण जावपाक लागल्या. 5 कुटूंबांच्या ताब्यांत भारताची पुराय अर्थवेवस्था आसा.

u. सैमाचो नाश करीत रावले जाल्यार सैम आमचेर परततलो, अशेंय मत जॉन बाबान मांडलें. जर अदानीन सौर उर्जेंत दुडू गुंतयल्ले आसात, जाल्यार तांणी कोळश्याची आयात बंद करची. आनी सोलर एनर्जीचेर प्रकल्प घालचे, अशें मत जॉनबाबान मांडलें.

v. स्वसनयंत्रां वास्कोकारांच्या जिणेचो एक वांटोच जावन पडल्यांत.

w. हे भौशीक सुनावणेंत गोंयांक हाचे फुडे 'कोळसो मुक्त केंद्र' घोशीत करपाची मागणी तांणी केली. आनी हांगाचे वातावरण निवळ करपा खातीर सगळ्यांनी वावुरचे म्हणून मागणी केली.

27. **श्री. सॅड्रीक डिसोझा, राय**

a. हजेरी पट सकाळी भोंवडावंक ना, पूण सांजे 3:15 वरांचेर भोंवडायल्लो आनी सुरवेच्या दिसांनी लेगीत अशेंच केलां.

b. 60% ड्रेजिंग केल्ल्यान कंपनीन कायद्याचें उल्लंघन केल्लें आसा. तांकां कितें दंड दितले? हो विशय कोर्टांत आसा अशें सांगून एम.पी.टी.न जाप टाळ्ळी. कोर्टाच्या सांगणे वयल्यान ही सुनावणी आयज जाल्या. आदेशाची प्रत खंय आसा?

c. सगळे मेळून हो एकूच प्रकल्प आसा. शास्त्रज्ञांचेर केस घालपाची गरज आसा.

d. उदकांतल्या जिविता परस मनीस चड म्हत्वाचे. आपल्याक शक्य आशिल्लें, म्हूण आपूण 30 वर्सां वास्को भायर रावपाक शकलों. कंपनी हांगाचें जल-जिवीत काबार करूंक सोदता? म्हूण तांणी एम.पी.टी.क प्रस्न केलो.

e. बंदरांत येवपी जहाजां आनी कार्गो तपासपाचो अधिकार कोणाक आसा? ह्या प्रस्नाचेर एम.पी.टी.न ह्या प्रस्नाची जाप लिखीत रुपांत दितले म्हूण सांगलें.

f. आपत्ती वेवस्थापन तयार आसा? ह्या प्रस्नाचेर जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी गोंयची आपत्ती वेवस्थापन येवजण तयार आसा मात ताची तालीम घडोवन हाडूंक ना. थोड्याच दिसांनी तालीम घडोवन हाडटले, अशें सांगलें.

g. 12 वर्सां मुंगरिल्लें जहाज काडूंक सरकाराक जमले ना. फुडाराक व्हडलें जहाज जर मुंगरलें जाल्यार ताचें कितें जातलें? असो प्रस्न तांणी केलो.

h. जहाजां भरतना जायते तरेचें धुल्ल प्रदुशण जाता, ते तांणी नदरेक हाडून दिलें.

i. सुनावणेच्या पयल्या दिसा प्रदुशणाचे स्तर तपासतले अशें मंडळान सांगिल्लें, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान ताचें कितें केलें?

**28. श्री. लऑलेन्सियो सिमोंयश, कांसावले**

a. कासांवली, वेलसांव, सांखवाळ, कुठ्ठाळी ह्या गांवांचो विचार हे सुनावणे खातीर करुंकूच ना. हीं सगळीं गांवां 10 कि.मी. च्या वाठारांत पडटात, अशे तरेचो कायदेशीर मुद्दो तांणी उपस्थीत केलो. ताचेर जाप दितना अध्यक्षान सांगलें, पयलेंच दिसा ह्या विशयाचेर आपणें आदेश दिल्लो आसा आनी तो परतून आदेश दिवपाची गरज ना.

b. कोर्टाच्या आदेशा प्रमाण 10 कि.मी. वाठारांतल्या गांवांचो अभ्यास कंपनीन करूंक नाशिल्ल्यान कायद्याचें उल्लंघन जालां, अशें श्री. **ऑलेन्सियो** हांणी सांगलें.

c. हाचे आदीच 65% ड्रेजिंग कंपनीन केलां, पूण प.प्र.त. अहवालांत मात 55% म्हणलां. अशीं परस्पर विरोधी विधानां कंपनीन केल्लीं आसात.

d. 14.4 सावन कितलें खोलाये मेरेन ड्रेजिंग केलां? असो प्रस्न विचारतकीच, खंयचेंच ड्रेजिंग एकाच समान खोलायेचेर ना, अशी जाप एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

e. हें ई.आय.ए.चें पुराय रितीन उल्लंघन आसा अशें तांणी सांगलें.

f. कटर ड्रेजर वापरून फातरांचें ड्रेजिंग करतले. फातरा वयलो स्तर निबर जाल्यार पोंदा माती लागता आनी देखून हो प्रस्न विचारतकीच ही गजाल हाचे आदीच स्पश्ट केल्या अशी जाप एम.पी.टी.न दिली.

g. वॅपकोसाक कितले पयशे कंपनीन फारीक केल्यात? सप्टेंबर 2016 आनी सुनावणेचो अहवाल दोनूय एका सारकेच आसात?

h. डॉ. आंतोनियो मास्केरान्हास जे जी.सी.झेड.एम.ए.चे वांगडी आसात तांणी थळांक भेट दिवन अहवाल दिल्लो आसा.

i. न्हंयेच्यो देगो कोंसळच्यो नात अशें पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अहवालांत खंयच म्हणुंना, अशें मत श्री. तांणी मांडलें.
j. दर्यांत 400 कि.मी.चे ड्रेजिंग फकत गोंयांत कोळश्याचे येरादारी खातीर करतले, अशें मत तांणी मांडलें.
k. आपूण रेल्वे लायनी लागीं रावता. पुराय हॉस्पेट मेरेन कोळसो आनी हेर कार्गोचे गळटीचो परिणाम सगळ्यांक भोगचो पडटा.
l. एम.पी.टी.न आपलें अधिकार क्षेत्र दर्या देगेचेर 52 कि.मी. मेरेन विस्तारलां, अशी जाप दिली. पूल बांदिल्ल्या कारणान बायणाची दर्यादेग नश्ट जाल्या.
m. भो. मुख्यमंत्री हांचे वांगडाचे बसकेंत नुस्तेमारी गांवां घोशीत करप आनी एम.पी.टी.चे अधिकार क्षेत्र निश्चीत करप, अशें थारिल्लें.
n. तें कंपनीन करिनासतना, कंपनी हो प्रकल्प आमचेर लादूंक सोदता, अशें मत श्री. सिमोयश हांणी मांडलें.
o. हाचो गोंयाक कितें फायदो जातलो?
p. आतां मेरेन चालू आशिल्ल्या मेंटेनन्स ड्रेजिंगाच्या परिणामाचो अभ्यास केला?
q. रिवर प्रिंसेस बोट मुंगरिल्ल्यान नेरूल वाठाराचेर जायते परिणाम जाल्ले. अशे तरेचें ड्रेजिंग हांगासर जालें जाल्यार दर्यादेग खचतली आनी पर्यटनाचेर खूब व्हड परिणाम जातलो.
r. ड्रेजिंगाक लागून खारें उदक न्हंयांनी आनी बांयांनी वचपाक लागतलें.
s. 6 द.ल.घन.मी. इतलो गाळ दर वर्साक ड्रेजिंगांतल्यान भायर काडटात. हाका लागून दर्यादेगो कोंसळटात.
t. बंदराक लागून 43% किनारपट्टी जिची हाचे आदींच धूप जाल्ली आसा, ती पुरायपणान नश्ट जातली.
u. लँडींगाचीं केंद्रां खारीवाडो, कोलवा आदी वाठारांनीच आसात. नुस्तेमारी सुवातांचो उल्लेख अहवालांत ना.
v. तकटो 3.2 प्रमाण अभ्यास वाठारांतल्या नुस्तेकारांची संख्या प्रस्तावकाक खंयच्यान मेळ्ळी?
w. ही माहिती नुस्तेमारी खात्या कडल्यान घेतल्या, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.
x. स्पश्टीकरण दिवपाक एम.पी.टी.चे अध्यक्ष हांगा कित्याक येवना? कोळश्याची गळटी जाता ताचेर कंपनीन कितें कारवाय केल्या?
y. प्रकल्पाचो विस्तार करून वास्कोकारांक कंपनी भायर धांवडांवक सोदता, अशें मत तांणी मांडलें.
z. यांत्रिकी आनी परंपरीक नुस्तेकारांची कुटुंबां 2 हजार आसतना लेगीत तांची संख्या ह्या अहवालांत दिल्ली ना.
aa. बायणा 100 कुटुंबां आनी डेस्टेर्रो 100 कुटुंबां, जाल्यार उरिल्ली कुटुंबां गेली खंय? हो अहवाल म्हणल्यार एक घोटाळो आसा. बोगमाळ हांगा फकत 23 नुस्तेमार आसात अशी माहिती कंपनीन दिल्या. प्रत्यक्षांत 120 नुस्तेकार हांगा आसात. खोलांत 80, सॉत्रांत 50 नुस्तेकार आसात. दरेका

नुस्तेकार कुटुंबांत सरासरी 5 लोक आसात, अशें गृहीत धरल्यार कितले लोक  जातात? हाचो विचार कंपनीन करचो अशें तांणी म्हणलें. सागरमाला प्रकल्पांत नुस्तेकारांची सब्सिडी काडून उडोवपाचें कारस्थान कंपनी करता, अशेंय मत सिमोंयश हांणी मांडिल्लें आसा.

bb. कासांवली, आरोशी नुस्तेकारांचो  उल्लेख लेगीत कंपनीन करूंक ना.

cc. कांदोळी, शिकेरी, कोको बीच हांचोय आसपाव अभ्यास वाठारांत जावंक ना.

dd. भितरल्या भूंय भागांतल्या नुस्तेकारांचो खंयच उल्लेख कंपनीन करूंक ना. अनुसुचीत जमाती हांगासर शिनाण्यो काडटात. तांच्या अधिकाऱ्यांचेर हांगासर बादा येवपाची शक्यताय निर्माण जाल्ली आसा.

ee. कांदोळी, शिकेरी, नेरूल, कोकोबीच हांगाच्या सुमार 1500 नुस्तेकारांक ह्या अभ्यासांतल्यान कंपनीन भायर दवरल्यात. तांकां हे सुनावणेच्या अधिसुचोवणेंत आसपावन घेवंक ना. तशेंच शिरदोण, मिरामार तांकाय बी आसपावन घेवंक ना. तशेंच नुस्तेंमारांच्या सुमार 8222 लोकसंख्येचो विचारूच ह्या अहवालांत करूंक ना.

ff. शिरदोण, पणजी, ताळगांव, गोवा वेल्हा हांच्या लोकसंख्येचो अभ्यास करूंक ना. सुमार 1 लाख 25 हजार लोकसंख्या आसा अशें म्हणलां. पूण ती जायती चड आसा.

gg. साबार गांवांचो विचारूच करूंक ना आनी तांकां मुद्दाम ह्या प्रकल्पांतल्यान भायर दवरल्यात.

hh. ड्रेजिंगाक लागून खदूळसाण वाडिल्ल्यान बॅन्थीक जिणेचेर परिणाम जातलो. अहवालांत ही गजाल कंपनीन मुद्दाम लिपयल्या.

ii. म्हयन्याक 10 हजार पगार धरल्यार लेगीत दरेकल्याचें 70 कोटींचें लुकसान जातलें.

jj. ड्रेजिंग सामुग्री 10 कि.मी. पयस उडयल्यार शुद्ध आनी अप्रदुशीत वाठार लेगीत प्रदुशीत जातले.

kk. कोरल जिविताचो उल्लेखूच हांगासर ना. जंय ड्रेजिंग सामुग्री उडयतले ते सुवातेचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना.

ll. गोंय राज्याक ह्या प्रकल्पाक लागून कितली येणावळ जातली? असो प्रस्न केल्यार एम.पी.टी.न आपल्याक आतां जाप खबर ना. लिखीत रुपान जाप दितले, अशें सांगलें.

mm. बेकायदेशीर कृत्य करून भौशीक सुनावण्यो घेवंक खंयच्या कायद्यान मान्य जाता? अशें विचारतकीच ताका जाप मेळ्ळी ना.

nn. सॅंडड्युम्स नश्ट करून सैमीक अडथळो निर्माण करपाचो यत्न कंपनी करता, अशे तांणी म्हणलें.

oo. ड्रेजिंगाक लागून नश्ट जाल्लें जिवीत परतून पयले स्थितींत कशें हाडूंक मेळटलें ? असो प्रस्न तांणी केलो.

pp. ड्रेजिंगाक लागून व्हडलें नुस्तें पयस पयस वता. ताका लागून नुस्तेकारांच्या पोटार हांवळ येतली, अशें तांणी म्हणलें.

qq. एका म्हयन्यात प.प्र.त.अहवाल कशे तरेन तयार करपाक येता? जी.सी.झेड.एम.ए. जाणकाराच्या आदारान हाचो अभ्यास करपाक जाय आशिल्लो.

rr. माती पोंदा बशिल्ल्यान प्रदुशीत माती पुराय तरेन दर्याचें प्रदुशण करतली ,अशेंय तांणी सांगलें.

ss. कालवां आनी खारफुटी जाती नश्ट जातल्यो. एम.पी.टी. क हें खबर तरी आसा? काय म्हूण असो प्रस्न तांणी केलो. ताचेर एम.पी.टी.ताका लिखीत जाप दितले म्हूण सांगलें.

tt. अध्यक्षांनी लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नांचें स्पश्टीकरण करूंक प्रस्तावकाक सांगलें.

uu. एक ऑयस्टर दिसाक 10 लिटर उदक निर्माण करता, अशे मत तांणी मांडलें. भौसाची जाल्ली हानी परतुपाक मेळना. 10 वर्सां लेगीत ताका पावची ना, अशें मत तांणी मांडलें.

vv. 70 कोटी रुपया दर म्हयन्याक कंपनी नुस्तेकारांक फारीक करतली? म्हणून तांणी प्रस्न उपस्थीत केलो.

ww.दर वर्सा उपरांत डांबराचे गुळे (तार-बॉल्स) दिश्टी पडटात हाचेर एम.पी.टी. कितें करता?.

xx. आमी तें प्रदुशण आडावपाचो यत्न करतात, अशी जाप कंपनीन दिली.

yy. जहाजांतलो धुंवर प्रदुशणकारी आसता.

zz. 100 परस चड एकर वाठार अडानी प्रकल्पान गुजरातांत नश्ट केला. आतां गोंयांत एम.पी.टी. तेंच करपाक सोदता. एके वटेन पुर्तुगेज सरकार बरें आसले.

aaa. जहांजांक जे टॉपेलर्स लायतात, ताचो धपको बसून दर्यातल्या व्हड नुस्त्यांक अपघात जातात. ताचें प्रमाण खूब व्हड आसा, अशी माहिती तांणी दिली.

bbb. ह्या प्रकल्पांक लागून रेल्वेचें दुपेटीकरण, न्हंयांची उसपणी आनी फोर वे अशे प्रकल्प घडटले, ते कंपनीन लिपयल्यात, अशें मत तांणी मांडलें.

ccc. न्हंयेच्या पात्रांचे कॉंक्रिटीकरण करपाचें आसा? म्हूण तांणी कंपनीक प्रस्न केलो.

ddd. ही सक्तीची ड्रेजिंग कंपनी गोंयचेर करता म्हूण तांणी आरोप केलो.

eee. ह्या पुराय अहवालांत बोर होल्सांचो उल्लेख ना.

fff. दर्यादेग आमचें सैमीक संसाधन आसा. ड्रेजिंगाक लागून पुराय दर्यादेग नश्ट जातली. समुद्री पात्राची वळख घडोवपी विश्लेशण कंपनीन करूंक ना. उपशिल्लो गाळ जमनीचो कस सुदारपा खातीर वापरपाचो आसता. तें सोडून कंपनी मात तो दर्यांत उडयता, असो तांणी आरोप केलो.

ggg. अकस्मात 5 मी. खोलाय 280 मी. रुंदाय आनी 6 कि.मी. लांबाय, हांका लागून गोंयच्या भुगोलीक जिविंतांत फरक पडटलो, अशे मत तांणी मांडलें.

hhh. बुनियादीक जर धपको बसलो जाल्यार पुराय मुरगांव तालुकाचीं घतसान उणावटली आनी भूंयस्खलन जातलें आनी हुंवारूय येतलो.

iii. तिनूय प्रकल्प एकामेकांक जोडिल्ले आसात. देखून हांगा सेटलायट पोर्ट, रेल्वेचें दुपेटीकरण, सागरमाला आनी फोरलेन हे सगळे मेळून ह्या प्रकल्पाचो वांटो आसात, अशें मत तांणी मांडलें.

jjj. एयर-वे ते एम.पी.टी. फोर लेन मार्ग लेगीत पयलींच जाम जाल्लो आसा. ताचेर 5 हजार ट्रकांची वाहतूक चडावत वाडयल्ल्यान लोकांक ताचो खूब त्रास जातलो.

kkk. सगळया फिशिंग जेटीचें रुपांतर टर्मीनल आनी ल्हान ल्हान पोर्टांनी जातलें, अशें तांणी मत मांडिल्लें आसा.

lll. कॅपसायज जहाजांचें सांडपाणी सोडपाचेर कितें नियंत्रण आसतलें? असो प्रस्न तांणी विचारलो.

mmm. नांवां दिल्या त्याच लोकांनी उलोवपाचें जिल्ल्याधिकाराचे धोरण चुकीचें आसा, असो कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करून तांणी आपलें उलोवप सोंपयलें.

**nnn.** तांणी तीनूय प्रकल्प सागरमाल, दुपेटीकरणा आनी हेर प्रकल्पांक कडेन जोडले.

**29. श्री. परशुराम शेटये, वाडें, वास्को**

a. एम.पी.टी. अध्यक्षान सुनावणेक आयिल्ल्या लोकांक भायले म्हणिल्ले खातीर तांणी विरोध केलो.
b. आतां मेरेन कितले प्रस्न उपस्थीत जाल्यात? आनी कंपनीन कितल्या प्रस्नांची नोंद केल्या? असो प्रस्न तांणी केलो. ताचेर कंपनीन सगळ्या प्रस्नांची नोंद जाल्ली आसा आनी आमी फावो ते तरेन जाप दितले अशे तरेन जाप दिली. कायदेशीर मुद्दे उपस्थीत करून सभेचे अध्यक्ष तांचे कडेन दुर्लक्ष करतात. खंयच्या प्रस्नांची जाप नोंद केल्या तांची जाप एम.पी.टी. कडेन नाशिल्ली.
c. आदेशांचेर सदांच आडनदर केल्या.
d. हे संबंदान आशी कसलीय राजकीय माहिती आसा जी लोकांक खबर ना वा सांगूंक ना?
e. दरेकल्याक समान मर्यादा मेळपाक जाय. 5-10 मिनटांची मर्यादा घालून फावोना, अशें मत तांणी उक्तायलें.
f. सुनावणेक गर्दी उणी जेन्ना आसता तेन्नाच रजिस्टर भोंवडायतात.
g. जीण जगपाचो हक्क आमकां संविधानान दिला. ताका प्रस्तावकान प्रस्नचिन्ह निर्माण केलां. आमकां स्वच्छ हवेचो स्वास घेवपाचो अधिकार आसा.
h. प्रकल्पाचें हाचे पयलीं सर्वेक्षण बी केल्लें? म्हूण तांणी एम.पी.टी.क प्रस्न केलो. ताचेर एम.पी.टी.न ताका ना म्हूण जाप दिली.
i. अभ्यास -
j. प्रकल्पाची येवजण सारकी ना. इ.सी. मेळचे पयलीं ड्रेजिंग केलां. लोकांक ते मेंटेनन्स ड्रेजिंग म्हूण सांगून घुस्पायल्यात. हांचेर गुन्यांवकारी केसी घालच्यो पडटल्यो, अशें मत तांणी मांडलें. .
k. कसलीच कायदेशीर मान्यताय आयचे सुनावणेक ना, अशें तांणी म्हणलें.
l. आयचो प.प्र.त. अहवाल पुराय तरेन चुकीचो आसा, अशें तांणी सांगलें.
m. प्रस्तावाकाचे प्रतिनिधी लोकांचे हुस्के पयस करपाक असमर्थ थारल्यात.
n. कांय देशांनी गुन्यांवकारांक विखारी गॅस घालून मारून उडोवपाची ख्यास्त दितात. तशेच तरेची ख्यास्त हांगाय बी दिवची, अशें मत तांणी उक्तायलें.
o. पुराय अहवाल म्हणल्यार कॉपी पेसश्ट अहवाल आसा.

**30. श्री. संजय रेडकार.**

a. फॉर्म एक (ए) ची फायल लागू जाता काय ना? असो प्रस्न तांणी एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांक केलो. ताचेर थोड्या वेळान जाप दिता अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें. हो थोडो वेळ केन्ना सोंपतलो? असो प्रती प्रस्न करतकीच फॉर्म I (ए) जो आसा तो लागू जायना अशी जाप एम.पी.टी.न दिली.

b. कित्याक लागू जायना? ह्या प्रस्नाचेर हाचे आदींच जाप दिल्या. परतून जाप दिवपाची गरज ना अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.
c. फॉर्म एक (ए) जो आसा तो सक्तीचो आसा आनी प्रस्तावकान भरूंक ना अशें संजय रेडकार हांणी सांगलें.
d. सी.डब्लू.पी.आर.एस. प्रमाण मेंटेनन्स ड्रेजिंग 3 द.ल. टन जाल्यार परवानगी मेळ्ळयार ते 6 द.ल. टन जातलें. ह्या पस्नाचेर एम.पी.टी.न सांगलें ही स्थिती दर्या वटेन आसतली, जमनी वटेन आसचीना.
e. आवट टर्नींग सर्कलाचें ड्रेजिंग 14.1 मी. खोलायचेर पुराय केलां, अशी जाप एम.पी.टी.न दिली.
f. निमाणें ड्रेजिंग केन्ना केल्ले? हो प्रस्न विचारतकीच ताका 2003 अशी जाप मेळ्ळी.
g. बर्थ 7, 8 चो ताबो कंपनीन केन्ना घेतलो.
h. हो प्रस्न ह्या प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना अशी जाप एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी दिली.
i. 2000ले ड्रेजिंगेक जबाबदार कोण? हाचेर एम.पी.टी.न आपूण जबाबदार अशी जाप दिल्ली आसा.
j. खोलाय 14.1 वयल्यान 14.5चेर कशी पावली? असो प्रस्न करतकीच कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी कांयच जाप दिवंक ना. ही गंभीर गजाल आसा आनी ही एक गुण्यांवकारी वृत्ती आसा अशें रेडकार हांणी म्हणलें.
k. प्रतिनिधीन जाप दिली, बर्थ क्रमांक 7 आनी 8 चो विस्तार अदानीन केलां. प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर प्र.प्र.क ड्रेजिंग करपाची गरज आशिल्ली आनी तें अदानीन केलां.
l. प.प्र.त. केला काय ना? एम.पी.टी.न काय अदानीन केला? हाचेर प.प्र.त. आमी केला आनी गरजेच्यो सगळ्यो परवानग्यो घेतल्यात, अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.
m. 7, 8चे विकास कंस्ट्रकसनाचे बाबतींत ही चवकशी आशिल्ली ताचेर बर्थ 7, 8 चे सुनावणेची तारीख, वेळ आनी थळ कितें आसतलें?
n. असो प्रस्न रेडकार हांणी करतकीच, हो प्रस्न ह्या प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना. तरी नोंद करून ताची जाप दितले म्हणून सांगलें.
o. पयलें कॅपिटल ड्रेजिंग केन्ना केल्लें?
p. जाप आयली परगतायल्लो हुस्को इ.ए.सी.क कळीत करतले.
q. पयलें कॅपिटल ड्रेजिंग केन्ना केल्लें? ह्या प्रस्नांक कंपनी जाप दिवंक ना.
r. पयल्या ड्रेजिंगाचो प्रभाव कितें जाल्लो ह्या प्रस्नाकूय कंपनीन जाप दिवंक ना.
s. पयल्या ड्रेजिंगाची लांबाय, रुंदाय, गणीती नोंद कितें आशिल्ली? हाचेरूय कंपनीन जाप दिवंक ना.
t. एक दीस वा दोन दीस वा काय म्हयन्यांचो अभ्यास ह्या खातीर फावोसो ना. कारण ताचो प्रभाव फुडली 50 वर्सां उरतलो.
u. पयल्या ड्रेजिंगाची म्हायती कंपनी कडेन आसा? म्हूण कंपनीक प्रस्न विचारतकीच फावो ते तरेन ह्या प्रस्नाक जाप दितले अशें कंपनीन सांगलें.

v. प्रस्तावकान जायती म्हायती जापो दिवंक ना, देखून ही सुनावणी रद्द करपाची मागणी रेडकार हांणी केली.

w. प्रस्तावक जापो दिना म्हूण भौशीक सुनावणी रद्द करपाक मेळना, म्हूण अध्यक्षानी सांगलें. भौशीक मसलत प्रक्रियेचो परिच्छेद 7 तांणी दाखयलो आनी ताचे प्रमाण प्रस्तावकान सगळ्यो मागण्यो पुराय करूं येता, अशें तांणी बरयल्लें आसा.

x. पेपरांत उजवाडायल्ले सुचोवणे प्रमाण लोकांक प्रस्तावकां कडल्यान स्पशिकरणां बरोवन घेवं येतात. पूण हांगां मात लोकांक प्रस्तावका कडल्यान जापोच मेळनात, अशें रेडकार हांणी सांगलें.

y. नोटिसी प्रमाण जापो मेळपाकूच जाय, असो आग्रह रेडकार हांणी धरलो.

z. अध्यक्षांनी 3 मे, 2017 ह्या दिसा आपलें उलोवप फुडें चालू दवरपाक सांगलें आनी जर एम.पी.टी.न जापो दिवंक ना जाल्यार आपूण तांकां जापो दिवपाक फोर्स करपाक शकचोना अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

aa. बर्थ क्र. 8 आनी 9 धरून ड्रेजिंगाचें पयलें बांदकाम केन्ना केल्ले?

bb. बर्थ 7 क इ.सी. केन्ना मेळ्ळी.?

cc. 14.1 ते 14.5 खोलायेची इ.सी. केन्ना मेळ्ळी?

dd. बर्थ 7 खातीर अभ्यास केन्ना केल्लो? केल्लो जाल्यार ताचो दुकुमेंट दिवचो.

ee. टर्नींग सर्कलाची लांबाय, रुंदाय, पयले ड्रेजिंगाजाचो बर्थ खंयचो? ताची म्हायती दिवची.

ff. ड्रेजिंग पयलीचे समुद्र तळाचे रेकॉर्डींग केल्ले आसत जाल्यार त्या रेकॉर्डाचेर नोंद दिवची.

gg. बंदरा भितर केन्ना निमाण्या समुद्री तळाची नोंदणी केल्या. ताचें तपशील दिवचें.

hh. पयल्या कॅपिटल ड्रेजिंगा उपरांत अभ्यास जाल्लो काय ना. मातयेची धूप, झुवारीची जैव-विवीधताय हांचेर जाल्ल्या प्रभावांचो अभ्यास केल्लो काय ना? अशे तेरेचे  प्रस्न रेडकार हांणी उपस्थीत केले.

ii. ड्रेजिंगेक लागून दर्या येरादारी आनी खारीवाडो दर्यादेगे लागीं आशिल्या बंदाराचेर जाल्ल्या प्रभावाची माहिती ह्या प.प्र.त. अहवालांचो वांटो आसा काय ना?

jj. तशेंच मंडळान केन्ना एम.पी.टी. कडल्यान सर्वसमावशेक प.प्र.त. मागला काय ना? असोय प्रस्न तांणी मंडळाक केलो.

kk. एम.पी.टी.न फाटल्या 40 वर्सांत कितले खेपे प.प्र.त.  केल्यात? असोय प्रस्न तांनी विचारलो

ll. तिनूय प्रकल्पां मदलें भौतीक अंतर तांणी विचारलें.

mm. हेर ड्रेजिंगा आनी बर्थ 5 आनी 1 एकामेकांक जोडल्यात काय वेगळे आसात?

nn. ताचेर 8, 9चे इनर ड्रेजिंगकशे जोडल्यात वा एका मेका परस कशे पयस आसात?.

oo. फॉर्म  I अनु.क्र. 20 चुकीचे आसा.

pp. पयल्या दुसऱ्या तिसऱ्या ड्रेजिंगाची रुंदाय कितली असोय प्रस्न तांणी विचारलो.

qq. सद्याच्या ड्रेजिंगाची लांबाय कितली रुंदाय कितली असोय प्रस्न तांणी केला.

rr. एम.पी.टी.न केल्ल्या सगळ्या ड्रेजिंगाचें गणिती अहवाल आपल्याक दिवचे अशेंय तांणी सांगलें.

ss. ताज्या उदाकाच्या जल सात्यांचो एक्वीफराचो कंपनीन 25 मी. 30 मी आनी 35 मी. समुद्री तळांचो अभ्यास केला काय म्हूण तांणी प्रस्न केलो.

tt. एन.आय.ओ.न तसो अभ्यास केला काय म्हूण तसो प्रस्न तांणी तांकां केलो.

uu. वास्को, मुरगांव, खारीवाडा हांगाच्या लोकांच्या राबित्याचेर कितें परिणाम जातलो? ताचो अभ्यास कंपनीन केला काय म्हूण प्रस्न रेडाकार हांणी तांकां केलो.

vv. एम.पी.टी.त साबार लँड स्लायड जाता अश्या घडणुकांचो तांणी अभ्यास केला काय ना असो प्रस्न तांणी तांकां केलो

ww.फॉर्म I जो आसा ताच्या विशयांत आपल्याक प्रस्न विचारपाचें आसा अशें म्हूण तांणी तांकां सांगलें.

xx. फॉर्म एक भितर 15 द.ल.टन अशें म्हणला. 6 द.ल. विशीं कांयच उल्लेख करूना असो प्रस्न तांणी केल्या उपरांत 6 द.ल. हो एक मैंटेनन्साचोच भाग आसा. मैंटनन्स ड्रेजिंगाचो ना अशें कंपनीन तांकां सांगलें.

yy. ड्रेजिंगसतत जायत आसा देखून भुगोलीक थळाची स्थिती जी आसा ती बदलत आसा अशें रेडकार हांणी सांगलें. हाका लागून खारीवाडा हांगाची संपत्ती जी आसा ती उनावत चल्ल्या. काल हांवे विचारिल्ल्या प्रस्नाक लागून पर्यावरणाचे पुराय चित्र लोकां मुखार उबे जाला. काल एम.पी.टी. कित्याक जापो दिनाशिल्ली? असो प्रस्न तांणी विचारलो.

zz. लागींचें रेल्वे स्टेशन 5 कि.मी. चेर म्हणलां ते फकत 2 कि.मी. चेर आसा

aaa. लागीचें शार 5 कि.मी.चेर म्हणलां पूण एकूच कि.मी. चेर आसा.

bbb. सगळे प्रकल्प एकामेकाक जोडिल्ले आसा. सगळे प्रकल्प एकामेकाक जोडिल्ले ना तर ते भौतीक आनी अर्थीक नदरेन स्वतंत्र आसात अशी जाप कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

ccc. 546 एकर जमीन क्षेत्र अशीं जाप कंपनीन दिली.

ddd. उदकाचेर अधिकार क्षेत्र कितलें अशें विचारतकच पुर्वे कडल्यान झुवारी पुला मेरेन आमचो उदकाचेर अधिकार आसा अशें कंपनीन सांगलें.

eee. सगळ्या प्रकल्पाचे अभ्यास क्षेत्र एक सारकेच आसा देखून ह्या सगळ्या प्रकल्पाचो अभ्यास एकवटीत करप गरजेचें आसा अशें रेडकारा हांणी सांगलें.

fff. ह्या ड्रेजिंग प्रकल्पा भितर 5 ए आनी 6 ए हाचे मदीं ड्रेजिंगाचे अंतर कितले? हाचेर जाप दिली, दोगांयची शिमा जी आसा ती एकूच आसा.

ggg. एप्रोच चैनल ड्रेज करतले काय म्हूण प्रस्न विचरतकीच, जाप हय म्हूण कंपनिच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

hhh. 5 ए आनी 6 ए एप्रोच चॅनल तेंकून आसा काय ना? अशें विचारतकीच जाप हय अशी दिली.

iii. 5 ए, 6 ए ड्रेजिंग हे एप्रोचा पासून सारकेच आसा देखून ते वेग-वेगळे प्रकल्प म्हणप सारके न्हय अशें श्री. रेडकार हांणी सांगलें.

jjj. 8ए आनी 9ए एप्रोच चेनलाक लागून एकूच शीम दाखयतात. ह्या प्रस्नाचेर जाप हय अशी कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. जाप जर हय आसत जाल्यार लुकसानान एकूच तरेचे भर पडटा. मागीर प्रकल्प वेग-वेगळे कशे? प्रती प्रस्न रेडकार हांणी केलो.

kkk. तिनूय प्रकल्प भौतीक आनी अर्थीक नदरेन वेगळे आसात अशे ताचेर कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

lll. सगळ्या प्रकल्पाचे अभ्यास क्षेत्र सामायीक आसात अशी जाप एम.पी.टी.न हाचेर दिल्ली आसा.

mmm. फॉर्म एक आनी प.प्र.त. .न चुकीची म्हायती आशिल्ल्यान हो प्रकल्प रद्द करचो अशी मागणी रेडकार हांणी दिली.

nnn. फॉर्म एक 23 क्र. जाप ना अशी दिल्या. प्रत्यक्षांत ती जाप आसा अशीं आसूंक जाय आशिल्ली.

ooo. ह्या क्षेत्रांत डॉल्फिन आसात काय ना? असो प्रस्न विचारतकीच, वाडीव क्षेत्रांत मात आमकां डॉल्फीन दिसूंक ना. प्रसार माध्यमांनी मात डॉल्फीन आसात अशें आमकां कळ्ळा हे एम.पी.टी.न मान्य केलें.

ppp. डॉल्फीन, विंडोव पेन, ऑयस्टर आनी कोरल हे सगळे वन्य जीव संवरक्षण 1972 प्रमाण राखीव आसात संवरक्षीत आसात आनी देखून पुराय रितीन म्हायती चुकिल्ल्या कारणान हो प्रकल्प रद्द करपाची मागणी रेडकार हांणी केली.

qqq. 19.5 मी. ड्रेजिंग करपाची परवांगी तुमचे लागीं आसा? काय म्हूण विचारतकीच कंपनी हय जहाजांचो आकार वाडटा आशिल्ल्यान, जहाज बांदनी मंत्रालयाच्या तत्वा प्रमाण एम.पी.टी.न बदल करपाक जाय आनी ते प्रमाण आमी ड्रेजिंग करतात अशी जाप दिली.

rrr. 12व्या पंच वर्सीय येवजणे प्रमाण फॉसील फ्युयेल आनी घाटक पदार्थ उणें करपाक जाय हे तुमकां खबर आसा?

sss. हय हे आमकां खबर आसा हें एक मार्गदर्शक तत्व आसा अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

ttt. अनुक्रमांक 26 भितर दिल्ली जाप चुकिची आसा.

uuu. थळावी जमीन वापर येवजन म्हळ्यार कितें? असो प्रस्न तांणी केल्या उपरांत- 546 एकर संस्थेची जमीन, राबित्याची जमीन - अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

vvv. समुद्राच्या तळा कडले भुयेंत ड्रेजिंगाक लागून जायते बदल घडटले देखून फॉर्म । भितर हय अशी जाप येवपाक जाय आशिल्ली अशे रेडकार हांणी सांगलें.

www. जमनीच्या स्थितींत कॅपिटल वा मेंटेनन्स ड्रेजिंगे खातीर कांयच फरक पडचो ना अशीं जाप कंपनीच्या अधिकाऱ्यान दिली

xxx. झुवारी न्हंयेंत तुमचे क्षेत्र खंय सोंपता? असो प्रस्न विचारतकीच उदक आनी दर्याचें पयलीचें क्षेत्र आमच्या अधिकार क्षेत्रांत येता अशी कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी जाप दिली.

yyy. दर्यांत जावपी ड्रेजिंगे विशीं दिल्ली माहिती चुकीची आसा.

zzz. विलो सामुग्रेच्या विल्या विशीं कितें अभ्यास केलां? अशें विचारतकीच ताची जाप अहवालांत 2 ते 17 भितर दिल्यात अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

aaaa. अदिवास कसलो? हाचो वन्य प्रजातीचेर कसलो परिणाम जातलो? हाचो अहवालांत कसलोच उल्लेख ना अशे रेडकार हांणी सांगलें.

bbbb. प.प्र.त. अहवालांत दिल्ली माहिती सारकी आसा आनी आमी ताचे कडेन संमत आसा, अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

cccc. ह्या वाठारांतल्या उदकांतले नुस्तें, कोरल जीव नश्ट जातले आनी असमर्थ असो हो वेळ निर्माण जातलो अशें मत रेडकार हांणी मांडलें. .

dddd. अहवाला भितर 1.21 आनी 1.23 सांगिल्ल्या एक्विफराचो अभ्यास केलां?

eeee. प्रस्तावीत ड्रेजिंग सुवातेचो कसलोच अभ्यास करूंक ना, अशी जाप एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

ffff. प्रस्तावीत ड्रेजिंग क्षेत्राचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना. हांगा ज्यो बांयो आसात, न्हयो आसात, झरी आसात, फोनारे आसात तांचेर व्हड परिणाम जातलो.

gggg. त्या वाठारांत उदकाचे साठे आसल्यार तांचो सोद घेतले आनी जतनायेची सगळीं पावलां उभारतले अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी ह्या प्रस्नाक जाप दितना सांगलें.

hhhh. ह्या प्रकल्पाच्या अहवालांत पुराय रितीन अर्दकुटो अभ्यास कंपनीन केला. सावदी अरेबियांत केल्ल्या अभ्यासाची देख तांणी दिली

iiii. अहवाल च्या 1.30 भितर सांगिल्ले प्रमाण ह्या वाठारांतल्या नुस्तेकारांचेर ह्या प्रकल्पाचो प्रभाव सगळ्यांत पयलीं जातलो आनी मागीर विंडोव पेन ऑयस्टर आनी हेर प्रजातींचेर जातलो. दिल्ली जाप चुकीची आसा आनी हो प.प्र.त. अहवाल रद्द करूंक जाय.

jjjj. नुस्तेंकार समाज दर्याचेर निबून आसता. तांचेर ह्या प्रकल्पाचो प्रभाव जावचो ना? काय म्हूण तांणी विचारले. तशेंच लोकांच्या भलायके विशींचोय अभ्यास करूंक ना.

kkkk. एम.पी.टी.न परिच्छेद 3.4 त ना अशीं जाप दिल्या. ड्रेजराच्या धुंवराक लागून प्रदुशणांत वाड जातली, हे गजालीचेरूय आडनदर केल्या. ह्या प्रकल्पाक लागून ह्या वाठारांत रावपी लोकांचीं जिवन शैली बदलतली.

llll. परिच्छेद 1.2 आनी 4.7 त दिल्ली माहिती एक सारकीच आसा आनी ती चुकीची आसा.

mmmm. परिच्छेद 3.4 आनी 5.1 त दिल्ली माहिती लेगीत एक सारकीच आसी.

nnnn. अश्यो चुको तांणी जायत्यो हेर परिच्छेदांतल्यो बी दाखोवन दिल्यो. धडो कोंसळपाची शक्याताय निर्माण जाता? जाल्यार तांकां विचारल्यार. तसली कसलीच शक्यताय ना अशी एम.पी.टी.न जाप दिल्या.

oooo. ड्रेजिंगेक लागून भूंयस्खलन जातलें आनी हें डॉ. मास्कारेन्हासच्या जी.सी.झेड.एम.ए. अहवालांत लेगीत सांगलां.

pppp. फार्म I च्या परिच्छेद 9.2 भितर एम.पी.टी.न ना अशी जाप दिल्या. गाळ काडल्यार भोंवतणेच्या सुवातांचेर रासायणीक द्रव्यांचो विपरीत परिणाम जातलो. तशेंच चिखली खाडी आनी लार्गींच्या संवरक्षीत वाठाराचेरूय ताचो परिणाम जातलो. ह्या अहवालांत ग्रांड आयलँडाचो उल्लेख लेगीत करूंक ना. ड्रेजिंगेचो इतिहास पळयलो जाल्यार आदी खारीवाडो दर्यादेग 100 मी. आशिल्ली आनी कॅपिटल ड्रेजिंगेक लागून आतां तिची रुंदाय 10 मी. उरल्या. तशेंच मेंटेनन्स ड्रेजिंग दर वर्सा जाता.

qqqq. आंतरराष्ट्रीय, राष्ट्रीय आनी राज्य स्तरीय सुवातांचो ह्या अहवालांत उल्लेख ना. एम.पी.टी. बंदर, ग्रांद आयलँड, सलीम अली पक्षी अभयारन्य, ओल्ड गोवाच्यो चर्ची, आग्वाड किल्ल्याचो लेगीत हांतूत करूंक ना.

rrrr. चिखली खाडींतल्या जैव-विविधतायेचेर थेट परिणाम जातलो अशें फोर्म I च्या अनु.क्र. 2 आनी 3, अनुभाग 3त सांगलां.

ssss. जमनी पोंदच्या एक्वीफर्सांचो उल्लेख लेगीत करूंक ना.

tttt. ह्या अहवालांत नावीक विमानतळ, आय.एन.एस. जिवंती, नॅवल कोस्त बॅटरी स्टेशन, नॅवल आर्मामेंट दाबोळी आनी चिखली आदींचो उल्लेख ह्या अहवालांत करूंक ना. देखून हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारूंक जाय.

uuuu. अहवालांत दिल्ली 28,000 लोकसंख्या ही मुरगांव मतदारसंघांतल्या मतदारांची संख्या आसा. सुमार 4 लाख लोकसंख्येचो ह्या अहवालांत उल्लेखूच ना. हेच खातीर हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारूंक जाय.

vvvv. अहवाल च्या अनुभाग 3 भितर शिक्षणीक थळां, धर्मीक थळां आदींचो उल्लेख करूंक ना. हाचे वेल्यान हो पुराय प.प्र.त. अहवाल चुकीचो आसा म्हूण समजता.

wwww. खारीवाडो, बायणा, कुट्ठाळी, मांडवी, झुवारी आनी मांडवी न्हंये देगेच्या खारफुटींचो आसपाव अहवलांत करूंक ना. तशेंच सांतआद्रे मातदारसंघ, शेता, शेतकी वाठारांचेर जावपी परिणामां विशीं लेगीत ह्या अहवालांत सांगूंक ना.

xxxx. अहवाल च्या परिच्छेद 11, अनुभाग 3 भितर एन.जी.टी. मुखार चालू आशिल्ल्या केशीचो उल्लेख लेगीत करूंक ना. म्हूण जाप ना अशी दिल्या.

yyyy. अहवाल च्या परिच्छेद 12, अनुभाग 3 भितर रुमदावाडा जेटीचेर भूंयस्खलन जाल्लें. पूण एम.पी.टी.न भूंयस्खलन जावंक ना म्हूण जाप दिल्या. प्रकल्पाच्या 1.5 कि.मी. ल्या बोग्दा, जेटी आनी हेर वाठारांनी कितलेशेच खेपे भूंयस्खलन जाला. तशेंच पयलीं सावन धुप जायत आसा, अशें तांणी सांगलें.

zzzz. 3 कि.मी. ल्या अभ्यास वाठरांत लाखभर लोकसंख्या आसा आनी तांचेर दिर्घकालीन परिणाम जातलो. ह्या परिणामांचो खोलायेन अभ्यास जावंक जाय अशें तांणी सांगलें.

aaaaa. तिनूय प.प्र.त. अहवालांचो उद्देश फकत व्हडा प्रमाणान कोर्गो आनी कोळसो हाताळणेचो आसा. देखून हें तिनूय एकठांय हाडूंक जाय आशिल्ले.

bbbbb. परिणामांचो अभ्यास 2006 च्या प.प्र.त. अहवाला प्रमाण जावंक जाय आशिल्लो.

ccccc. तिनूय प्रकल्प वेग-वेगळे दाखोवन प्रभाव उण्या प्रमाणांत दाखोवंक सोदतात.

ddddd. खोलायकरण फकत कॅपसायज जहाजां खातीर करतात म्हूण तिनूय प.प्र.त. अहवालांत सांगलां.

eeeee. बार्ज बर्थ मेरेन बर्थ 5ए ची लांबाय कितली आसतली? एम.पी.ती.न जाप दिली 1800 मी.

fffff. भलायकेच्या आनी अर्थीक नदरेन प्रजातींचेर आनी लोकांच्या जिणेचेर व्हड परिणाम जातलो देखून एम.पी.टी.च्या ह्या ड्रेजिंग प्रकल्पाक खरपणान विरोध करता.

ggggg. थळाव्या प्रजातींक लागून आनी आमकां ह्या पर्यावरणांत जगपाचो हक्क आशिल्लयान हांव ड्रेजिंगेक विरोध करता.

hhhhh. हांव भायलो न्हय.

iiiii. हांगां कोणूय रासायनीक शास्त्रज्ञ आसा? एम.पी.टी. ना म्हूण जाप दीली. रासायनीक शास्त्राज्ञाक रुजू करप काळाची गरज जाल्या अशें तांणी मुखार सांगलें.

31. **श्री. संजय परेरा, कांकरा, सांताक्रूज, पंच वांगडी**

a. आपल्या पंचायतीक ई.आय.ए.ची प्रत आपणाक मेळूना म्हूण तांणी आरोप केलो.
b. कांकरा ऑडशेल हांकां बी अहवालांतल्यान भायर मारल्यात अशेंय तांणी सांगलें.
c. देखून ह्या प्रकल्पाचे फायदे वा लुकसान लोकांक खबर ना.
d. हांगाच्या नुस्तेकार समाजाचो कंपनीन अहवालांत विचारूच करूंक ना.
e. झुवारी न्हंयतल्या नुस्त्याचे प्रमाण खबर ना. आय.सी.ए.आर. संघटनेन सद्याक नुस्त्याच्यो 218 जाती हांगा आसात अशें सांगला. आनी तांतूतल्यो 18 जाती लेगीत शिल्लक उरतले काय हाचे विशी दुबाव आसा आशे तांणी आपले मत परगतायले.
f. आमी गोंयकारांनी गोंयच्या मातयेची राखण करूंक जाय अशें मत तांणी मांडलें.
g. तशेंच ही सगळी बेकायदेशीर द्दतपणा आसा ताका आमी कितले दीस मेरेन झगडपाचे? अशेंय तांणी विचारले.
h. ड्रेजिंग जातकीच नुस्त्याचें प्रमाण वाडटले काय देवंतले असोय प्रस्न तांणी केलो. ताचेर तांणी सांगलें ड्रेजिंगेच्या वेळार व्हडली व्हडली नुस्तीं पळून वटली अशें हाचे आदींच सांगलां.
i. नुस्तेमारी खात्याचो विचार करुंक नाशिल्ल्यान आपूण ड्रेजिंगाक विरोध करता. ताचेर अध्यक्षांनी ते आपले इच्छे प्रमाण अहवाल तयार करता. आपल्याच्यान ताका फोर्स करपाक जायना अशें सांगलें.

32. **श्री. जेसिंतो डिसोझा**

a. 2011 वर्सा 66 घरां कोशळिल्ली तेन्ना वास्कोंत एक व्हड आंदोलन जाल्ले. नुस्तेकारांनी तेन्ना एम.पी.टी.ची जहाजां आडायल्ली. तेन्ना सरकारान सगळ्या पोलिटीकल पार्टीची बसका आयोजीत केल्ली.

b. हे बसकेंत जायती चर्चा जाल्ली तांतूत एम.पी.टी.चे अधिकार क्षेत्र नुस्तेमारी गांव बी थारावपा संबंदान थाराव जाल्लो.
c. विधी सचिवान सांगिल्ले की एम.पी.टी. कडेन कसलीच कायदेशीर मान्यताय ना.
d. 1963 वर्सा एम.पी.टी. आयली. कायद्या प्रमाण जांचे कडेन ताबो आसा तो धनी जाता, जाल्यार नुस्तेकार धनी कशे जायना.
e. आपूण हांगाच्यो न्हंयो, हांगाचे समुद्र हांचेर आपूण पारंपारीक वेवसाय करपी धनी आसा. पिळग्या पिळगी आपलो वेवसाय हांगां चलता. आमी हांगाचे मालक आसा आनी आमच्या कडेन दुकुमेंत आसा.
f. कराराचे दुकुमेंत मागले उपरांत ते दुकुमेंत हांगा दिवपाक जावचे ना अशे कंपनीन सांगलें.
g. नुस्तेकारांचे पोट भरपाचे साधन एम.पी.टी.न बळजबरेन काडून घेतला.
h. नुस्त्याचे प्रमाण हाका लागून कमी जातले आनी नुस्तेमारी खात्या कडल्यान हाचे खरेपण करून घेंव येता.
i. लोकांनी वेवसाया खातीर रिना काडल्यात. थळाव्या लोकांक हांगासरल्यान भायर वच्चे पडटले. ताचेर जाप दितना जे अहवालांत आसा आनी लोकांचे प्रस्न आसात ते सगळे आमी विचारांत घेतले अशे तरेची जाप कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली.
j. समाजीक अर्थ शास्त्र प्रभावांचो अभ्यास केला काय म्हूण प्रस्न विचारतकीच ही जाप कंपनीन दिली.
k. प.प्र.त.त दिल्ले माहितीची आमकां जाणविकाय आसा आनी आमकां ते मान्य आसा, अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.
l. जहाज बांदनी मंत्र्याक 2011 वर्सा राज्य सरकारान बरयल्ल्या पत्राचो संदर्भ दिवन. खूब आदल्या काळा सावन नुस्तेकार जे हांगाचे आसा ते परंपरीक नुस्तेकार आसात अशें तांतूत बरयल्ले. एम.पी.टी.न विस्तार केल्यार तांचे सगळ्यांचे जिवीत नश्ट जातले. एम.पी.टी.न काम थांबावप काय विस्तार करप हे थारावपाची गरज आसा अशें तांणी म्हणलें.
m. हो प्रकल्प केन्ना विचारांत घेतिल्लो असो प्रस्न विचारतकीच 21-10-2016 दिसा हो प्रकल्प प्रस्तावीत आशिल्लो अशी जाप कंपनीन दिली.
n. हाचेर सर्व पक्षीय बसका जाल्ली. ती कंपनीक खबर आसा?
o. आमकां ती बसका खबर ना अशें एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.
p. परतून पयल्या पत्राचो संदर्भ दिवन एम.पी.टी.न काम नियंत्रीत करपाची याद करून तांणी दिली.
q. पारंपारीक नुस्तेकारांक विस्थापीत करून तांच्या हक्काचेर बादा राज्य सरकारान हाडूंक जायना.
r. ते बसकेक एम.पी.टी.चे अध्यक्ष, एम.पी.टी.चे उपाध्यक्ष हाजीर आशिल्ले. 16/4/2011 दिसा ती बसका जाल्ली अशें तांणी सांगलें.
s. गोंयच्या मुखेलमंत्र्यान लेगीत हो प्रस्न सोदोवपा खातीर एक बसका आपयल्ली. किनारपट्टीच्या बांदकामाचे नियमीकरण करप  हो बी ते बसकेचो विशय आशिल्लो.

t. 16/04/2011 दिसा जाल्ले बसकेंत किनारपट्टीच्या बांदकामाचे नियमीकरण करप हो बी एक विशय आशिल्लो. आमी विपक्षी उलोवण्यात आनी हो प्रस्न समजीकायेन सोदोवपाक सदांच तयार आसात अशी जाप कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी ह्या प्रस्नाचेर जाप दितना सांगलें.

u. आमकां नुस्तेकारांच्यो मागण्यो मान्य आसात आनी गोंय राज्य आनी एम.पी.टी. ताचे खातीर बांधील आसात.

v. एम.पी.टी.च्या वॅबसायटीचेर हरित बंदराचो उल्लेख आसा ते खातीर खंयची पावलां उबारल्यांत ? एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी जाप दिली, ते खातीर उदकाची तपसणी चालू आसा. प.प्र.त.त हाचो उल्लेख केलां?

w. पान 3-42 मजगती ताचो हे गजालीचो उल्लेख केला, अशी जाप एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

x. बंदारा वयल्या उदकाची तपसणी केल्या काय म्हूण विचारिल्ल्या प्रस्नाक फायटोप्लँकटोन, झुप्लँकटोन, मायक्रो बेन्थोस अशेतरेच्या उश्म जिवावळींचो अभ्यास मुद्दाम कंपनीन केल्लो आसा अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यानी सांगलें. लोक आयज ह्या वाठारांत पेवपाक लेगीत वचनात इतले हें उदक प्रदुशीत जाल्ले आसा अशे सांगून मेंटेनन्स ड्रेजिंगच्या नांवा खाला कंपनी कॅपिटल ड्रेजिंग करता.

y. वास्को खाडींतलो चॅनल केन्ना सावन अस्तित्वांत आयलां? 1963 पयलीं काय उपरांत? जहाजांनी बंदरांक भेट दिवपाक सुरवात केल्ले सावन हो चॅनल अस्तात्वांत आसा, अशी जाप एम.पी.टी.च्या अधिकाऱ्यांनी दिली.

z. मेंटेनन्स ड्रेजिंग कितलें जातलें? एम.पी.टी.न जाप दिली, सुमार 3 द.ल.ट. वर्ग मी.

aa. मेंटेनन्स ड्रेजिंगच्या नांवान एम.पी.टी. कॅपिटल ड्रेजिंग करता. जाका लागून दर्यादेगेची धूप जाता. एम.पी.टी. आनी नुस्तेकारांनी मेळून एक स्वतंत्र सर्वेक्षण करपाक जाय अशें तांणी सांगलें.

bb. ड्रेजिंगगांक लागून घरांक तडे गेल्यात आनी ती आतां नक्कीच कोंसळटली.

cc. थळावें लोक आनी नुस्तेकारांचे लुकसान जाला. नुस्तेकार गरीब जाला आनी तांकां लुकसान भरपाय दिवपाची मागणी लेगीत डिसोझा हांणी केली.

dd. हिंदू मुसंदीचे दार आतां फाटल्यान उगडे आसता. फुडले प्रवेश द्वार जे आसा ते उदकांत बुडला.

ee. वास्कोंत पयली हांगा खेळा मैदान आसले.

ff. तशेंच वास्कोन लेगीत जैव विवीधताय आशिल्ली. आपून वास्को लेगीत काल्वा काडटालो. हाचो कसलेच तरेचो उल्लेख ह्या अहवालांत करूंकना अशें तांणी सांगलें.

gg. हाय तेनशन लायन लेगीत कंपनीन काडून उडयल्या असो आरोपा तांणी केलो. ताचेर जाप दितना. 5 ते 6 वर्सा पयलीं ती अंडर ग्रावंड केल्या अशें कंपनीन सांगलें. तावर जो आसा तो उदकांत गेला ताचे कारण जे आसा ते ड्रेजिंगा खातीर.

hh. दोनूय तरांच्या ड्रेजिंगगांक लागून लोकांची घरां नश्ट जातली.

ii. मेनतेनन्स ड्रेजिंग बेगोबेग बंद करचे नाजाल्यार घरां कोंसळतली.

jj. 7 आनी 8 बर्था मदीं ब्रीज आशिल्लो भुरगें पणान आपून थंय नुस्तेमारीक वतालो सद्याक थंय कांयच ना.

kk. सद्याची फिशींग जेट्टी हालोवपाचो विचार आसा? म्हूण विचारतकीच आधुनिकरणाचो तो एक वांटो आसा अशी कंपनीन तांकां जाप दिली.

ll. वास्कोचो बेट उरतलो काय ना? असो प्रस्न विचारतकीच वास्कोचो बेट उरतलो अशीं कंपनीन तांकां जाप दिली.

mm. पी.ओ.एल. जेट्टी खंय हालयटले? अशें विचारतकीच तांणी पी.ओ.एल. जेट्टी दावे वटेन व्हरतले अशें अहवालांन सांगला अशें तांणी सांगलें.

nn. एम.ओ.यू.न पारंपारीक नुस्तेकारांक समजीकाय करार जाला तांतूत कित्याक आसपावन घेवंक ना? ताचेर अध्यक्षानी हो प्रस्न आयचे सुनावणेचो वांटो जावपाक सकना अशें सांगलें.

oo. अंतरराष्ट्रीय ड्रेजिंगाची तकनीक कंपनी पाळटा? अशें विचरतकीच कंपनीन हय अशी जाप दिली. कितले

pp. भितर खोलाय ड्रेज करचे हाचेर कितें मर्यादा आसा? काय विचारल्यार, अभ्यास करून ती थारायतात अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें.

qq. ड्रेज केल्ली सामुग्री खंय उडयटात? 12 ते 14 कि.मी. चेर आशिल्ल्या विलो सुवातेचेर ती उडयतात म्हूण कंपनीन जाप दिली.

rr. कुळागाराचो अभ्यास केला काय ना? अशें विचारतकीच 3 ते 10 पानांचेर हाच्यो जापो दिल्ल्यो आसात अशें कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें. कंपनीन ल्हारांच्या स्थितीचो अभ्यास केल्लो ना.

ss. भरती स्थितीचो अभ्यास केल्लो ना. ताचेर जाप दितना भरती सुकती ही सैमीक स्थिती आसा. तिचेर एम.पी.टी.चो ताबो आसना अशी जाप दिली.

tt. न्हंयेत तुमी खोल वचपाक सोदतात? काय म्हूण प्रस्न केलो तेन्ना. आमी न्हंयेत खंयचेच तरेचे ड्रेजिंग करना अशी जाप कंपनीच्या अधिकाऱ्यानी दिली.

uu. शितकावणी यंत्रांची तयारी लेगीत कंपनीन करूंक ना.

vv. मातयेची धूप जी जाता तिचो अभ्यास लेगीत कंपनीन करूंक ना. असो प्रसन कंपनीक करतकीच आमी ह्या प्रस्नाची नोंद घेतल्या अशीं जाप कंपनीन दिली.

ww. धुल्ल प्रमाणाचेर उपाय कंपनीन केल्या काय ना? विचारतकीच, आमी ह्या वाठारांत उदकाची फवारणी करतात. कार्गो येरादारीच्या वेळाचेर आमी धापून घेतात तारपत्रेन. तशेंच स्क्रिनी लायतात. अशें तरेचे वेग-वेगळे उपाय जे कंपनी करतात ते सांगलें. निवाशी वाठार आनी भालायकेच्या नदरेंतल्यान ताचो अभ्यास जावपाची गरज तांणी उक्तायली.

33. **श्री. सुरज नायक**

a. इल्ले तरी नुस्तें फुडाराक उरतले काय म्हूण तांणी प्रस्न केलो.

b. ह्या सुनावणेची नोटीस कंपनी कडेन आसा काय म्हूण प्रस्न करतकीच ती कंपनीच्या ऑफिसांत आसा अशी जाप तांणी दिली.

c. जिल्ल्याधिकार स्वनील नायक हांणी बेगोबेग सकयल दैंवचे असो आरोप तांणी केलो. ह्या सुनावणेची सगळी प्रक्रिया फावो ते तरेन चालू आसा. आपूण वा अतिरिक्त जिल्ल्याधिकार हांगा बसू येता. सद्याक अतिरिक्त जिल्ल्याधिकार आपणाक इतिवृत्त बरोवपाक मजत करता अशें तांणी सांगलें.
d. हि सुनावणी टिळक मैदानाचेर कित्याक? असो तांणी प्रस्न केलो. जाल्यार ताचेर सभेच्या अध्यक्षांनी फुडल्या तीन मिण्टां भितर तुमी तुमची मतां मांडची अशी तांकां विनवणी केली.
e. जाल्यार आपलो उलोवपाचो हक्क तुमी न्हयकारतात अशें सांगून तांणी आपले उलोवप सोपयले.

34. **श्री. उद्धव पोळ**
a. ते आनी तांचे कुटुंब वास्को रावतात. प्रकल्पाक लागून ताका भलायकीचें हेर समस्या भोगच्यो पडटात. घुसमतमारी, टी.बी. आनी खोकली अशें तरेचे प्रस्न गोंयकारांक भोगचे पडटात अशें तांणी सांगलें. तशेंच कंपनी सोबीत गोंय नश्ट करपाक सोदता अशें तांणी सांगलें.
b. अदानी आनी जिंदाल हे राहू केटू कशें गोंयांक नश्ट करपाक भायर सरिल्ले आसात.
c. कार्यकारी सारांस, पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अहवाल हे दोगूय एकामेकाचे विरूद्ध आसा अशें म्हणून तांणी सांगलें. एकान दिल्ली माहिती दुसऱ्यान ना देखून हो प्रकल्प रद्द करपाक पुरोसो आदार आसा अशें तांणी सांगलें. हो प्रकल्प बंद केलो ना जाल्यार लोक आंदोलन करतले अशें उद्धव पोल हांणी सांगलें.

35. **श्री. सॅबी मास्कारेन्हास, वास्को**
a. 60% ड्रेजिंगपयलीच जाल्ले आसा.
b. ह्या ड्रेजिंगगाचेर तुमचेकडेन जाणकार व्यक्ती आशिल्ली काय विचारल्यार कंपनीन हय म्हूण जाप दिली. जाल्यार ती हांगा उपलब्द ना असो तांणी तांचेर आरोप केलो.
c. ई.सी. कोणे दिल्या? एम.पी.टी.न परवानगे बगर ड्रेजिंग करून कायद्याचे उल्लेघन केला, अशें तांणी म्हणलें. हेच खातीर ही भौ.सु. दवरल्या अशी जाप गों.रा.प्र.नि.मं.न दिली.
d. गों.रा.प्र.नि.मं.न ई.सी. दिवपा विशींचें स्पश्टीकरण दिलें.
e. 60% ड्रेजिंगचो वावर पयलींच पुराय जाला. वास्को खाडींतल्या घरांचेर जावपी परिणामा विशीं तुमकां खबर आसा?
f. एम.पी.टी. आपलो हेत गुपीत हेतू पुराय करपा खातीर खारीवाडा आनी बायणांतल्या नुस्तेकारांक हालोवंक सोदता. एम.पी.टी.न स्वता स्थलांतरी जावंक जाय.
g. ज्वलनशील सामुग्री कितल्या प्रमाणांत येता?
h. 400% कोळसो हाताळणेचो विपरीत परिणाम जातलो, अशें तांणी सांगलें.
i. मुरगांव नगरपालिकेन कोळश्याचे येरादारीचेर बंदी हाडून लेगीत ह्या वाठारांत सांज जाल्या उपरांत कोळश्याची येरादारी कशी जाता? हाचेर जिल्लोधिकारी कारवाय कित्याक करना?
j. भौंवतणेच्या वाठारांत रावपी सुमार 50,000 लोकसंख्येचो उल्लेख ह्या अहवालांत करूंक ना. फटीचो अहवाल तयार करून सल्लागार लोकांची जीण धोक्यांत घालता.

k. पर्यावरणीय कारवायेतल्यान वाचपा खातीर एम.पी.टी.न तिनूय प्रकल्प वेग-वेगळे दाखयल्यात.
l. कसलीय आपातकालीन येवजण तयार आसा? आपतकालीन येवजण तयार आसा. पूण ताची तालीम घडोवन हाडूंक ना.
m. बॅन्थीक प्रजातीक वाटांवपाचे सोडून एम.पी.टी. समुद्री जिणेचो नाश करूंक सोदता, अशें तांणी सांगलें.
n. म्हाका प.प्र.त. अहवालांतल्यान चुकिची माहिती धाडपाची ना. तांणी आपल्यो हरकती लिखीत स्वरुपानूय दिल्यो.

मता मानून जाले उपरांत सभेचे अध्यक्ष अतिरिक्त जिल्ल्याधिकार हांणी लोकांक सांगले जांका आजुनूय ह्या प्रकल्पा विशीं आपली मता, हरकती नोदोवपाच्यो आसा वा सुचोवण्यो दिवपाच्यो आसात त्यो तांणी आयचे तारकेसावन 7 दिसा भितर गोंय राज्य प्रदुशण मंडळाक धाडून दिवच्यो. त्यो बी ह्या हियरींगाचोच एक वांटो अशें मानतले आनी संबंदीत प्राधिकारणाकूय धाडून दितले.
अशे तरेन नोंद केल्ले हे इतिवृत्त लोकांक इंग्लीश आनी कोंकणींतल्यान वाचून दाखयले. आनी मागीर ताचेर श्री. जॉनशन फर्नांडीस अतिरिक्त जिल्ल्याधिकार 2 आनी अतिरिक्त दंदाधिकारी दक्षिण, आनी श्री. संजीव जोगलेकार पर्यावरण प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे पर्यावरणीय अभियंते हांणी ताचेर निशानी केली. ही भौशीक सुनावणी 27 एप्रिल 2017 दिसा वेळ कमी पडिल्ल्यान 2, 3 आनी 4 मे, घडोवन हाडली फुडे एडजर्न करून. तशेंच ही सुनावणी 4 दीस चल्ली आनी तांचे मिनिट्स मागीर लोकांक इंग्लीश आनी कोंकणींतल्यान वाचून दाखयले. आनी लोकांनी ताचेर सुचोवण्यो करून त्यो सुदारले उपरांत 7 दिसा भितर ती सुचोवपाची मान्यताय दिली. 812 लोक जे ह्या सुनावणेक हाजीर आशिल्ले तांणी ह्या हजेरी पताचेर निशानी केल्ली आसा. 24 निवेदना म्हणल्यार अर्ज ह्या प्रकल्पांतले गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक हांगा प्राप्त जाल्ले आसा. ताचे उपरांत कंपनीच्या अधिकाऱ्यांनी आपली स्पश्टीकरणा हांगा दिल्ली आसात. ताचेर भोवसान आनीक काय ओब्जेकशन हांगा काडल्यात.
तांतूत ऑलेनसियो सिमोयश हांणी सांगले. की सगळी तरेची स्पश्टीकरणा आसात ती ह्या प्रकल्प प्रस्तावकान दिवंक ना आनी म्हणून आपल्याक हांगा ताचेर वेगळे प्रस्न विचारपाची इत्सा आसा. ताचेर अध्यक्षांणी सांगले की ज्यो जापो अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्यो आसात ताची नोंद हांगां घेतील्ली आसा. आनी ज्यो जापो दिवंक ताची बी नोंद हांगा केल्ल्यो आसात.
लोकांच्या प्रस्नांक स्पश्टीकरण दिवपाचो आदेश अध्यक्षांनी प्रकल्प प्रस्तावकाक दिलो. ते प्रमाण प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्राधिकृत प्रतिनिधीन सकयल्ले स्पश्टीकरण दिलाः
एम.पी.टी.च्या प्रतिनिधीन सकयल्ले प्रमाण सादरीकरण केलां:

1. एम.पी.टी.ची पुराय भूंय-स्थीत आस्थापनां दक्षिण गोंयांत आसात आनी देखून पर्यावरणी भौशीक सुनावणेचें अध्यक्षपद करूंक दक्षिण दंडाधिकारी ह्या पदावयली व्यक्ती योग्य आसा.

2. बंदर प्राधिकरण फाटलीं पांच दसकां कॅपिटल ड्रेजिंग आनी मेंटेनन्स ड्रेजिंग करीत आसा, हाचे वेल्यान वहनयोग्य चॅनला लागींच्या वाठाराची भूगर्भीय रचणूक स्थीर आसा आनी स्खलनशील/प्रवण ना दें सिद्ध जाता.
3. सी.डी.च्या सकयल 14.1-14.3 मेरेन खोदिल्लो चॅनल आनी 31.05.2016 मेरेन आनीकूय खोल खोदिल्ल्या जहाज चॅनलांत 1:2 सरासरींत वा 45 डिग्रींत सायडीच्यो पालसाणी आसतात आनी अशे स्थितींत ताका स्थिरताय प्राप्त जाता. ते विशिश्ट खोलायेचेर आशिल्ल्या थराची विशिश्ट्यपूराय रचणूक मतींत घेवन ही पालसाण निश्चीत केल्ली. देखरेख पूर्व आनी उत्तर ड्रेजिंगाचे दरेके बॅथोमॅट्री उपरांत, शिप-चॅनला खातीरच्यो पालसाणी स्थिर आशिल्ल्याचें दिश्टी पडलां.
4. एम.पी.टी.च्या लागींच्या दोंगुल्ल्यांचे पालसाणीचेर हालीं तेंपार व्हडा संख्येन निर्माण जाल्ल्यो वसणुको बेकायदेशीर आसात आनी नगर नियोजन तशेंच अभियांत्रिकी सुरक्षा नेम आडनदर करून उबारल्यात. बंदरा वयल्या उपक्रमांक लागून ह्या वसणुकांक कसलोच धोको ना, वयल्यान धोकोदायक पालसाणींचेर असुरक्षीत बांदक सामुग्री आनी तकनिकी वापरून त्यो बांदिल्ल्यानच तांकां धोको निर्माण जाला. व्हडा प्रमाणांत दोंगर कापणी आनी बेकायदेशीर बांदकामाक लागून दोंगुल्लेच्यो पालसाणी अस्थीर जाल्ल्या कारणान हांगाची चडशीं घरां भर पावसांत कोंसळटना दिश्टी पडटात तशेंच दर्यादेगे मुखावयले सुवातेंत जायतीं बेकायदेशीर घरां आसात जीं भरती-सुकती आनी भूंयेंतल्या उदका-पाजराचे अधीन आसतात. त्या भायर चडशीं घरां बेकायदेशीर बांदकामा आशिल्ल्यान तीं अशक्त आसतात आनी देखून तीं पडटात वा सैमीक कारणांक लागून कोंसळपाच्या मार्गार पावतात.
5. एम.पी.टी., जी.एस.एल., नॅवल जॅटी, चिखली आनी झुवारी न्हंयेचे पुराय दक्षिण देगेचेर साबार जहाज बांदवळ/दुरुस्तीचे उपक्रम फाटलीं 5 दसकां चलता आसून लेगीत झूवारी अभयारण्य आनी पर्यावरणाच्या जैव-विविधताय स्तितीचेर कसलोच दखलपात्र विपरीत परिणाम जाल्ल्याचो पुरावो मेळूंक ना. एन.आय.ओ., आय.सी.ए.आर., नुस्तेंमारी खातें हांणी केल्ल्या हालींच्या अभ्यासाच्या अधिकृत संख्याशास्त्री नोंदी वेल्यान दोनापावल, ग्रांद आयलँड आनी झुवारी अबयारण्यांत आनी ताचे भोंवतणेच्या वाठारांनी स्थीर वर्सुकी नुस्तेमारी उत्पादन आशिल्ल्याचें दिश्टी पडलां. ड्रेजिंगा वेळार समुद्री सूक्ष्म-जिवावळींत घट जाल्ल्याचें उल्लेख ना. सगळ्योच जैव प्रजाती सैमीक घडणुकांक लागून भोंवतणेच्या वाठारांत स्थलांतरीत जातात, पूण प्राणी आनी हेर जिवावळ तो वाठार थीर जातकीच थंय परततात हें सर्वज्ञात सत्य आसा. तशेंच पर्यावरणी स्थितीचेर आदरून जिवावळीची वेळावेळार पुनर्निमणी जाता हें शास्त्रीय नदरेन सिद्ध जालां. ड्रेजिंगाक लागून नुस्तेंमारीचेर परिणाम जाता हो आरोप तर्कशुन्य आसा आनी ह्या विशयाक पुश्टी दिवपी कसलोच दस्तावेज राज्य सरकारा वरवीं प्राप्त ना.
6. आदल्या काळांत आनी हालीं तेंपार झुवारी न्हंयेच्या आनी भोंवटणेच्या जल-पर्यावरणा विशीं एन.आय.ओ. आनी आय.सी.ए.आर. हांणी केल्ल्या साबार अभ्यासा वेल्यान जल-जैव-विविधतायेचो दखलपात्र ऱ्हास बा बंदर उपक्रम आनी जल-पर्यावरणाचे घटक हांचो परस्पर संबंद आशिल्ल्याचें दिश्टी पडूंक ना. श्री. बबन इंगोले हांणी 17 मार्च, 2015 तारखेक जारी केल्ल्या पत्राचो संदर्भ असो आसाः

- फांटली साबार वर्सां चालू आशिल्ल्या एम.पी.टी., गोवा शिपयार्ड लिमिटेड आनी लागींच्या बार्ज/जहाज बांधणी आस्थापनांचो थेट परिणाम चिखली खाडीचेर जाता. पूण हे उपक्रम लागीच्या वाठारांनी चालू आसून लेगीत खारफुटी आनी मॅक्रोफायटस धरून 200 प्राण्यांच्यो आनी 34 फायटो प्लांक्टनांच्यो प्रजाती पोसपी चिखली खाडी ही एक गिरेस्त जल-जैव-विविधताय जावन आसा. विंडोपॅन ऑयस्टरा (प्लॅसुना प्लासंटा)चे सैमीक जैवसांठे चिखली खाडीच्या मोव आनी मातकट उपथरांनी सांपडटात आनी तांचें प्रमाण/संख्या निरोगी/अबाधीत आसा. पी. प्लॅसंटाची वसणूक वाडी खातीर आनी उत्पादना खातीर चिखली खाडी आदर्श आसा अशें हालींच्या अभ्यासाच्या निकाला वेल्यान होल्मता.
- कालवांचो आसपाव वण्यजीव अधिनियमाच्या अनुसूची IV भितर जाला. गोंयां खातीरच्या उपलब्ध प्रकाशीत संशोधन माहिती प्रमाण, ही प्रजाती नावशी खाडींत (शिरदोण) झुवारी न्हंयेचे उत्तर देगेचेर आनी झुवारी न्हंयेचे दक्षिण देगेचेर चिखली खाडींत सांपडटा. सांकवाळ वाठारांत (भौशीक मळाचेर उपलब्ध आशिल्ल्या प्रकाशीत अहवालां प्रमाण) कालवां उपलब्ध नात.
- उण्या संख्येन लोक गोंयांत कालवां खायत आसले तरी ताचे उत्पादनाचें प्रमाण खबर ना.
- कालवां विशीं गोंयांतलो पयलो सोद वावर नावशी वाठारांत जालो (अच्युतनकुट्टी एट एल 1979). तांणी 350-400 कालवां प्रती वर्ग मीटर उत्पादनाची नोंद केली. उपरांत त्याच वाठारांत एन.आय.ओ.न लेगीत 2006 वर्सा 335-420 कालवांची उत्पादन-नोंद केली. (इंगोले आनी क्लेमेंट 2006) ह्या अभ्यास-पेपरांत अशें तरेन समारोप केला.
- आदल्या तेंपा वयल्या चडश्या भरभराटीच्या संसाधनांचेर प्रदुशण आनी हेर मानवी उपक्रमांनी वर्चस्व केल्ल्या भोव लांबदीक काळा उपरांत लेगीत, कालवांची आयची स्थिती सकारत्मक/समादानकारक आसा. हालींच्या अभ्यसांत नोंद केल्ल्या कालवांचे प्रमाण आदल्या अभ्यासांतल्या (अच्युतनकुट्टी एट एल 1979) प्रमाणा कडेन तुळा करपा सारकी आसा. त्याभायर 1979 तल्या अभ्यासांत कालवांनी फकत 8 पर्ल्स नोंद जाल्ले, हालींच्या अभ्यासांत 14 पर्ल्सांची नोंद जाल्या.
- इंडियन कावंसील ऑफ एग्रिकल्चरल रिसर्च, ओल्ड गोवा, गोवा हांणी हालींच ऑक्टोबर, 2013 - सप्टेंबर, 2014 मजगती केल्ल्या अभ्यासांत, झुवारी न्हंयमुखांत एकूण 186 जल-प्रजातींची (150 फिनफीश आनी 36 शॅलफिश) नोंद केल्या. तातूंत पुराव्यांसयत नोंद केल्या ते प्रमाण झुवारीचें न्हंयमुखांतल्या पुराय परिस्थितिकी-वेवस्थेंत नुस्तें आनी शॅल-फिशांची (कट्टेधारी नुस्तें) गिरेस्त जैव-विविधताय आसा आनी गोंयच्या समुद्री आनी ब्रॅकीश नुस्तें उत्पादनांत तांचें प्रमाण दखलपात्र आसा. 150 फिनफिशां भितर जाता. शॅलफिशां भितर 17 क्रस्चेशियन आनी 19 मोल्युस्क प्रजाती आसपावतात.
- हो हालींचो अभ्यास आनी एन.आय.ओ.च्या 2006/2010तल्यान प्राप्त स्थिती वेल्यान, मुरगांव पोर्ट ट्रस्ट, गोवा शिपयार्ड, साबार जहाज बांधणी यार्ड आनी 1970 सावन सेगीत चालू आशिल्ल्या मीन येरादारी उपक्रमाक लागून जावपी विपरीत पर्यावरणी प्रभाव “उणावपाक”

भरती-सुकतीचें गतीशास्त्र आनी झुवारी न्हंयमुखाची स्थितीस्थापकताय हांणी हातभार लायला ह्या मताक पुश्टी मेळटा.

7. जंय फाटली 5 दसका मेंटेनन्स ड्रेजिंग चलतालें त्याच वाठारांत कॅपिटल ड्रेजिंग करतले. हो चॅनल जहाज-चॅनल आसा आनी तांतूत जहाजांच्या वहनाक प्राधान्य दितात. जहाज-चॅनलांत नुस्तेमारी आनी संबद्ध उपक्रमांक मनाय आसता. ही मनाय सुरक्षेच्या कारणाक वागून आसता. दोनूय वटांनी उफेवपी-कुरवो (बुयोस) दवरून ह्या चॅनलाच्यो शिमो दाखयतात. रातच्या वेळार ह्यो कुरवो विजेच्या दिव्यांनी प्रकाशीत करतात, जी एक नामनेची वहन उपेगी तरा जावन आसा. हो बुयोस 250 मी. अंतरचेर लायतात.
8. सी.डब्ल्यू.पी.आर.एस. हांगा बायड्रॉलीक आनी ल्हारांचो वेवस्थीत अभ्यास करून निश्चीत केल्ल्या पूर्वनिर्धारीत वाठारांत खोदून काडिल्ली सामुग्री उडयतात. मेंटेनन्स ड्रेजिंग हो वर्सुकी उपक्रम आसा, आनी तांतूतली सामुग्री स्पॉयल ग्रावंडाचेर उडयतात. हो स्पॉयल ग्रावंड, तातूंतलो गाळ सैमीक प्रवाह वांगडा उत्तर दिखेन खोल दर्यांत व्हांवन वतलो, अशे तरेन वेंचून काडटात. सी.डब्ल्यू.पी.आर.एस. हांचो अभ्यास आनी प्री-पोर्ट बॅथिमॅट्री चार्टा वेल्यान लेगीत हें सिद्ध केल्लें आसा. सूक्ष्म-जिवांचें स्थलांतरण फकत ह्या सामुग्री उडोवपाच्या वाठारा पुरतें सिमीत उरता आनी थळावे नुस्तेकार ह्या वाठाराचे अनुकूल स्थितीक लागून ह्याच वाठारा लार्गी नुस्तेमारी समाज धरून सगळ्या भागीदारांक पूर्वसुचोवणी दिवनच कॅपिटल आनी मेंटेनन्स ड्रेजिंग हेर खंयचोय समुद्री-उपक्रम राबयतात.
9. सं.सं. प्रमाण जैव-विविधताय अभ्यास एन.आय.ओ.न केला आनी जैव-विविधतायेचेर जावपी परिणाम निश्चीत करपाचे नदरेन सी.डी. प्रकल्प पुराय जातकीच फुडल्या तीन वर्सांत जैव-विविधताय अभ्यास करपाचें बंदरान थारायलां.
10. किनरपट्टी अभ्यास लेगीत जून, 2016 सावन एन.आय.ओ.न केला आनी दर स म्हयन्यांनी बंदराक अहवाल प्राप्त जाता.
11. सिल्टेशन ल्हार-स्थिरतायेचेर अभ्यास आनी जलगतीशास्त्र अभ्यास सी.डब्ल्यू.पी.आर.एस., पुणे हांणी जानेवारी, फेब्रुवारी 2016 म्हयन्यांनी केला. ह्या दोनूय अभ्यासांचे निश्कर्श अशे आसातः
    - मुरगांव पोर्ट वाठार आनी मुरगांव खाडीच्या वयल्या प्रवाहा लार्गीच्या वाठारांत गाळ वहनाची मुखेल यंत्रणा 'सस्पेंडेड सेडिमेंट ट्रान्सपोर्टाक' लागून आसा. ल्हारांनी निर्मीत 'बॅड शिअर स्ट्रॅस' मुखेलपणान 'सस्पेन्शनांत' निकृश्ट सामुग्री हाडूंक जबाबदार आसता जी मुखार 'सस्पेन्शन' वाठारांत हेर क्षेत्रांनी प्रचलीत भरती-सुकतेच्या प्रवाहाक लागून व्हांवन वता. सिल्टेशनाची मुळावी तपासणी मोलावणी करूंक गोल एट 1971 हांचे सिद्धांत भोवच मोलाचे आसात. पूण मेंटेनन्स ड्रेजिंगाच्या योग्य अनुमाना खातीर सेडिमेंटीची पर्याप्त माहिती, क्षारताय संहत आनी भरते-सुकतेचो भौतीक आनी ल्हार नमुनांकन अभ्यास भोवच महत्वाची थारता.
    - मुरगांव पोर्ट विकासाच्या खोलायकरण प्रस्तावा खातीर एकूण वर्सुकी मेंटेनन्स ड्रेजिंगाच्या प्रमाणाचें अनुमान सुमार 6 द.ल.घ.मी. इतलें केलां, जें सद्याक 3.0 द.ल.घ.मी. आसा. 90%

परस चड गाळ भरणी (सिल्टेशन) दक्षिण पश्टिम मान्सुनाच्या प्रवेश चॅनल वाठार आनी बंदर वाठार हांचे मदीं सम प्रमाणांत वांटून वता.

- प्रस्तावीत खोलायकरणा खातीर यूटीएम 35,600 पू. आनी 1705000 उ. हांगा 2 कि.मी. x2 कि.मी., (-) 27.0 मी. कंटुराचेर एप्रोच (प्रवेश) चॅनलाचे उत्तरेक विलो करपाची सुवात (डिस्पोजल ग्रावंड) सोदून काडल्या.
- भूमितीशास्त्रीय नदरेन समान (श्रेणीः जी.एस.1:100) भौतीक ल्हार नमुनांकन हायड्रॉलिक अभ्यासा वेल्यान, सी.डी.च्या पोंदा -19.8 मी. आनी 19.5 मी. खोल करपाच्या प्रस्तावीत प्रवेश चॅनल खोलायकरणाच्या उपक्रमाचो ल्हार अडंथळ्यां खातीर सद्या चाली आशिल्ल्या बंदरा वयल्या वावराचेर कांयच विपरीत परिणाम जावचो ना. हें सिद्ध जालां. उरफाटें, मुरगांव बर्थ वाठाराच्या सगळ्याच बर्थां लागींची सद्याची ल्हान स्थितीस्थापकताय चॅनल खोलायेकरणाक लागून 5-10% सुदारतली. उत्तर-पश्चिम आनी पश्चिम ह्या दोनूय प्रसंगीक ल्हार स्थितीं खातीर सगळ्या बर्थां वयली दखलपात्र ल्हार उंची 0.50 मी. परस चड आसचीना. जाल्यार मुरिंग डॉल्फिन्सा लागी [(एम.डी.-1) आनी (एम.डी-2)] उत्तर-पश्चीम आनी पश्चिम ह्या दोनूय प्रसंगीक ल्हार स्थितीं खातीर दखलपात्र ल्हार उंची 0.80 मी. परस चड आसचीना.

**<u>लोकांनी उपस्थीत केल्ल्यो हरकती</u>**

a. आपणे आनी हेरांनी भौशीक सुनावणी वेळार उपस्थीत केल्ल्या साबार प्रस्नांक प्र.प्र.न दिवपाच्या स्पश्टीकरणा संबंदांत श्री. ओलेन्सियो सिमोयश हांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो. तशेंच प्रकल्प प्रस्तावकान दिल्ल्या स्पश्टीकरणाचेर ताका प्रतिक्रिया दिवपाची आशिल्ली.

b. प.प्र.त अधिसुचोवणे प्रमाण, प्र.प्र.न इं.ए.सी.क दिवपाच्या अंतीम प.प्र.त. अहवालांत विस्तारान स्पश्टीकरणां दिवप गरजेचें आसा, अशी माहीती अध्यक्षांनी दिली. स्पश्टीकरणांक प्रतिप्रस्न करपाची विनवणी मानून घेवंक ना.

c. श्री. सिरील फर्नांडीस हांणी प्र.प्र.न सुनावणे वेळार उपस्थीत जाल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक जापो दिवंक नात, असो दुसरो कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो. अध्यक्षांनी प्रकल्प प्रस्तावकाक स्पश्टीकरण दिवपाक सांगतकीच, प्र.प्र.च्या प्रतिनिधीन, भौशीक सुनावणे वेळार उपस्थीत जाल्ल्या चडश्या प्रस्नांचे स्पश्टिकरण दिलां आनी उरिल्ल्या प्रस्नांचें स्पश्टीकरण अंतीम प.प्र.त. अहवालांत दितले आनी तो इ.ए.सी.क धाडटले अशें सांगले. साबार प्रस्नांचो सारको विचारच करूंक नाशिल्ल्यान प.प्र.त. अभ्यास पुराय रितीन चुकला असो दावो करपी श्री. सिरील हांणी उपस्थीत केल्ल्या हेर प्रस्नांचें स्पश्टीकरण करपाची तांची इत्सा ना, अशेंय ताणें सांगले.

d. श्री दिनेश डायस हांणी चित्र 2.2 चो संदर्भ दिवन तें स्पश्ट दिसना अशें सांगलें. अध्यक्षांनी तांका ते चित्र स्पश्टपणान दिसपी सी.डी. दिवपाचें उतर दिलें. उपरांत तांणी 2.25 पाना वयल्या, त्या चित्रा विशीं स्पश्टीकरण मागलें. टर्निंग सर्कलाचो उल्लेख तांतूत फकत एकाच सर्कलाचो उल्लेख आसा अशें सांगलें पूण उपरांत दिनेश डायस हांणी दाखोवन दितकीच दोन टर्निंग सर्कला आशिल्ल्योचें मान्य केलें.

अशे तरेन नोंद केल्ले हें इतिवृत्त लोकांक कोंकणी आनी इंग्लिशींतल्यान वाचून दाखयलें आनी उपरांत ताचेर सुचोवण्यो येतकीच आनी तें मान्य जातकीच ताचेर श्री. जॉन्सन फर्नांडीस, अतिरिक्त कलेक्टर ॥

आनी अतिरिक्त दंडाधिकारी (दक्षिण) आनी श्री. संजीव जोगळेकार, पर्यावरणी अभियंते गों.रा.प्र.नि. मंडळ हांणी निशाणी केली.

लोकांनी तांच्यो हरकती/सुचोवण्यो/मतां आसल्यार त्यो 7 दिसां भतर गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन सादर करच्यो अशी विनवणी अध्यक्ष/अतिरिक्त जिल्ल्याधिकारी हांणी जमिल्ल्या लोकांक केली. त्यो हे सुनावणेचोच एक वांटो जातल्यो आनी त्यो संबंदीत नियमन प्रधिकारिणीं कडेन धाडटले.

ही भौशीक सुनावणी 27/04/2017 दिसा आशिल्ली, पूण वेळ उणो पडिल्ल्यान आनी साबार लोकाक तांची मतां मांडपाची आशिल्ल्यान 02/05/2017, 03/05/2017 आनी 04/05/2017 दिसा घेतली. ही भौशीक सुनावणी चार दीस चल्ली आनी तिचें इतिवृत्त कोंकणी आनी इंग्लीश भाशेंत वाचतकीच सोंपली.

हे भौशीक सुनावणेक हाजीर आसिल्ल्या 812 लोकांनी वांगडा जोडिल्ल्या हजेरी पटाचेर निशाणी केल्या.

एकूण 24 निवेदनां प्रप्त जाल्यात.

आयज, 4 मे, 2017 दिसा.

Sd/-
(डॉ. मोहन आर. गिराप)
सायन्तिस्त 'सी', जी.एस.पी.सी.बी.

Sd/-
(संजीव जोगलेकार)
एवनायरोमेंटल इंजिनियर, जि.एस.पी.सी.बी.

Sd/-
(जॉनशन बी. फर्नांडीस)
एडिशनल जिल्ल्याधिकार II &
--- डिस्ट्रिक्त मॅजिस्ट्रेट (दक्षिण)

Sd/-
(स्वनील नायक)
जिल्ल्याधिकार एन्ड डिस्ट्रिकट मॅजिस्ट्रेट,
दक्षिण गोंय.